

*स. ह. भ. प. गोविंदराव रघुनाथ दाभोलकर रचीत*

# श्रीसाईसच्चरीत

उजवाडावपी :
**जयंत मु. ससाणे**
अध्यक्ष,
**श्री साईबाबा संस्थान विश्वस्त वेवस्था, शिर्डी**
शिर्डी कार्यालय :– मु. पो. शिर्डी – ४२३१०९, ता. राहाता.
जिल्लो अहमदनगर, महाराष्ट्र राज्य.
फोन : ०२४२३ – २५८५००, २५८७३४
फॅक्स : ०२४२३ – २५८७७०, २५८८७०
ई – मेल : saibaba@sai.org.in
इंटरनॅट वॅबसायट : www.sai.org.in
**मुंबय कार्यालय** : साईनिकेतन, ८०४ – बी, डॉ. आंबेडकर मार्ग, दादर, मुंबय – ४०० ०१४
फोन : ०२२ – २४१६६५५६, २४१६१२९३
फॅक्स : ०२२ – २४१५०७९८
ई–मेल : saibaba@bom3.vsnl.net.in

**छापणावळ :**
ब्लू बर्ड (इं) लि.
७५९ / ७४,
प्रभात रोड,
डेक्कन जिमखाना,
पुणे ४११ ००४.

हो ग्रंथ शिर्डीचे श्रीसाईबाबा संस्थान विश्वस्त वेवस्था हांचे वतीन उजवाडायला.
ताचे सगले हक्क संस्थाना कडेन आसात.

आवृत्ती :– १

मोल रु. :–

प्रति :–

वर्स :– २०११

# ॥ श्री साईसच्चरीत ॥

**श्रीगणेशाय नमः॥ श्रीसरस्वत्यै नमः॥ श्रीसद्‌गुरूभ्यो नमः॥**

**गुरुर्ब्रह्मा गुरुर्विष्णू गुरुर्देवो महेश्वरः। गुरूः साक्षात परब्रह्म तस्मै श्रीगुरवे नमः॥1॥**

**ब्रह्मानंदं परमसुखदं केवलं ज्ञानमूर्तीं । द्वंद्वातीतं गगनसदृशं तत्त्वमस्यादिलक्ष्यम्॥**

**एकं नित्यं विमलमचलं सर्वधीसाक्षिभूतं । भावातीतं त्रिगुणरहितं सद्‌गुरूं तं नमामि।**

## उपोद्घात

सुमार पन्नास वर्सां पयलीं (आतां तातूंत आनीक देडशें वर्सांची भर पडल्या आसूंये.) श्रीसाईनाथ म्हाराज पयले फावट शिरडी आयले. शिरडी हो गांव अहमदनगर जिल्ल्यांत कोपरगांव म्हालांत आसा. म्हाराजाचो मूळ गांव खंयचो आनी तांचे पालक कोण, हाचे विशीं खात्रीची अशी माहिती मेळना. इतलें मात निश्चीत दिसता, तें म्हणल्यार म्हाराजांचो मोगलाई कडेन बरोच संबंद आसपाक जाय. म्हाराजांच्या उलोवपांत शेलू, जालना, माणवद, पाथरी, परभणी, नौरंगाबाद (औरंगाबाद), बीड, बेदर ह्या मोगलाईच्या गांवांचो परत परत उल्लेख येतालो. एकदां पाथरीचो एक मनीस म्हाराजांच्या दर्शनाक आयिल्लो. ताचे कडेन उलयतना म्हाराजांनी पाथरीची खबर विचारून थंयच्या भोवतेक मुखेल मुखेल अशा मनशांचीं नांवां घेवन तांची चवकशी केल्ली. हाचे वयल्यान म्हाराजांक पाथरीची खासा माहिती आसली अशें मानपाक जाता. मात तांचो जल्म थंयचोच आसतलो अशें खात्रीन सांगपाक जावचें ना.

तशेंच, म्हाराज मूळचे ब्राह्मण आसले काय ते जल्माचेच मुसलमान तेंय निश्चीतपणान सांगप कठीण. हाचेय मुखार वतना

तांच्या भोवतेक भक्तांच्या मानपा प्रमाण ते 'अयोनीज' आसले काय कितें तेंय सांगपाक मेळना. म्हाराजांक अयोनीज मानप हें भक्तांचे नदरेक अशक्य दिसतलें, पूण ह्या लेखकाक तशें दिसना. एकदां ह्या लेखका कडेन उलयतना म्हाराजान, 'आतां हांव वतलों तो आठ वर्सांचो जातकच येतलों' अशें म्हणिल्लें. श्रीकृष्णाची मूर्त देवकी माते कडेन प्रगट जाल्ली तेन्ना आठ वर्सांचीच आसली अशें पुराणांत वर्णन आसा. 'आठा वर्सांची मुर्ती । लखलखीत उजवाडांत दिसली । तेजान धाय दिका उजळ्ळ्यो । तेन्ना लिपले चंद्र सूर्य' । (हरीविजय अ. **३**, ओं. **१२६**). म्हाराजांचे चडशे भक्त तांकां साधकाचे सिद्ध जाल्ले मानिनात. म्हाराज म्हणल्यार प्रत्यक्ष अवतार अशें ते मानतात. म्हाराजांचे चमत्कार आनी तांची अद्‌भूत शक्त पळोवन तांकां श्रीकृष्णाचो अवतार मानपीय बरेच जाण आसात. म्हाराज मात तो अधिकार स्वता कडेन घेनासले. उलयतना ते स्वताक परमेश्वराचो सेवक 'बंदा' अशें म्हणून घेताले. आपल्या गुरूंचो पूर्ण आशिर्वाद आपणाचेर आसा आनी तांचेच कृपेन भक्तांचीं संकश्टां पयस जावन तांचें कल्याण जाता, अशेंय ते सांगताले. भक्तांक आशिर्वाद दितनाय 'अल्ला भला करेगा' अशेंच ते म्हणटाले. ते केन्नाच स्वता कडेन व्हडपण घेनासले. ते केन्नाच 'अनल हक्क' म्हणल्यार 'हांवूच परमेश्वर' अशें म्हणिनासले. मात तांचो उच्चार परत परत 'यादे हक्क' म्हणल्यारूच 'हांव परमेश्वराचें स्मरण, म्हणल्यार याद, करतां' असो आसतालो.

एका मुसलमान मनशागेर साकून वराती वांगडा म्हाराज शिरडीक आयले. ताचें नांव चांदभाई. धूपखेडे ह्या गांवचे ते पाटील आसले. एका दिसा तांचो घोडो शेणलो म्हूण ताका सोदपाक ते रानांतल्यान चलताले. तेन्ना थंय एका झाडा पोंदा बशिल्ले म्हाराज तांचे नदरेक पडले. म्हाराजांक तांणी आदीं केन्नाच पळोवंक नासले. म्हाराजांनी तांकां उलो मारलो आनी चिलीम ओडून वच अशें सांगलें. तेन्ना तांणी आपलो घोडो शेणला म्हणून ताका सोदपाक आपूण वतां अशें सांगलें. ताचेर म्हाराजान म्हणलें, ''ते खातीर इतले पयस कित्याक वचपाक जाय? तो पळय तुजो घोडो कुशीच्या दुरगा फाटल्यान आसा''. म्हाराजांचीं उतरां आयकून चांदभाई त्या दुरगा कडेन गेले. पळयता जाल्यार खरेंच तांचो घोडो थंय चरतालो. चांदभाईन घोडो घेतलो आनी म्हाराजां सरेन

आयले. म्हाराजांनी तांकां चिलीम ओडपाक दिली. वतना चांदभाईन म्हाराजांक आपल्या घरा येवपाचो आगरो केलो. ताचेर म्हाराजांनी तांकां 'हांव फाल्यां येतां' अशें सांगलें. सांगिल्ले प्रमाण दुसऱ्या दिसा म्हाराज तांच्या घरा गेले. चांदभाईक चिलीम ओडपाक दिली थंय उजो नासलो. म्हाराजांनी आपल्या हातांतलो चिमटो जमनीर आपटलो. ते बराबर थंय उजो निर्माण जालो. ताचेर म्हाराजांनी चिलीम पेटयली.

उपरांत कांय दीस म्हाराज चांदभाईच्या घरा रावले. मागीर चांदभाईच्या भाच्याची सोयरीक शिरडीचे एके चलये कडेन जाली. ते लग्नाचे वराती वांगडा म्हाराज शिरडीक आयले. गांवा भायर आशिल्ल्या खंडोबाच्या देवळा कडेन वरात राविल्ली. म्हाराज खंडोबाच्या देवळांत गेले. थंय तांकां **म्हाळसापती** नांवाचे गृहस्थ मेळ्ळे. शिरडीचेच नागरीक आशिल्ले हे म्हाळसापती जातीन दैवज्ञ आसले. ते खंडोबाचे भक्त. कितल्याश्याच पिळग्यां सावन खंडेरायाची वारी तांगेर आसताली. म्हाराज खंडेरायाच्या देवळांत गेले तेन्ना तांच्या आंगार कफनी, तोपी आनी धोतर असो भेस आसलो. तांचेर नदर पडली तेन्ना म्हाळसापतीन तांकां 'आवो साईबाबा' अशें म्हणून येवकार दिलो. म्हाराजांनी तेंच नांव म्हणल्यार **'साईबाबा'** अखेरे मेरेन आपणायलें. म्हाराजांचे चडशे भक्त तांकां **'साईबाबा'** वा **'बाबा'** अशेंच म्हणटाले. म्हाराजांची एकदां एका कामांत आयोगाचेर साक्ष जाली. थंय तांकां नांव विचारलें तेन्ना तांणी, 'म्हजें नांव साईबाबा' अशी जाप दिली. म्हाळसापती म्हाराजांक घेवन गांवांत आयले आनी थंय तांणी आपले इश्ट **काशिराम शिंपी** आनी **आप्पा जागले** हांचे कडेन म्हाराजांची भेट घडयली. ते तिगूय गांवांत येवपी साधुसंत, गोसावी - वैरागी, फकीर - फुकारी हांची आपले तांकी प्रमाण सेवा करून तांचे आशिर्वाद घेताले. मुखेल येरादारीच्या मार्गार आशिल्ल्यान शिरडी गांवांत वयले तरेच्या लोकांचें येवपवचप चालूच आसतालें. तांची सेवा ते करताले. हे तिगूय (काशिराम, आप्पा आनी म्हाळसापती) म्हाराजांचे सर्वार्थान भक्त जाले. मुखार कांय वर्सां उपरांत तांचे मदल्या काशिराम आनी आप्पा हांकां मरण आयलें. काशिराम अंतरले उपरांत कांय वर्सांनी आप्पाय अंतरले. मात दोगांच्याय मरणा दिसा एकादस आसली. हरिभक्तांचें

मरण हरिच्याच दिसा जाता म्हणटात तशें त्या दोगांचेंय जालें.

काशिरामान म्हाराजांची सेवा तळमळीन आनी तनानमनान केली. म्हाराजांची कफनी आदीं भगवी वा धवी आसताली. काशिरामान तांकां पाचवी कफनी आनी पाचवी तोपी शिवूंन दिली. पूण म्हाराज चडशे धवीच कफनी घालताले आनी तकलेक धोतर बांदताले. तशेंच म्हाराजांक चिलीम, तंबाकू दिताले आनी तांचे धुनी खातीर जळवाचीय पुरवण करताले. गरज पडल्यार पयशेय दिताले. हें व्रत काशिरामान चलयलें. मुखार मुखार ते आपलें पयशांचें पाकिटूच म्हाराजां मुखार दवरताले आनी जाय तितले पयशे काडून घेवचे अशी म्हाराजांक विनवणी करताले. म्हाराज तेन्ना पयशे घेनासले, तरीय काशिरामा कडल्यान पयसो दोन पयशे सदांच घेताले. म्हाराजांनी आपले कडल्यान दक्षणा घेवची हे खातीर काशिरामाच्या जिवाक तळमळे लागताले. केन्नाय एक दीस म्हाराजांनी दक्षणा घेतलिना जाल्यार तांच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळटालीं. अशे तरेन वायट दिसप हे लेगीत परमार्थाक घातक आसता. कित्याक तर तातूंतल्यान 'म्हजे भितर दिवपाची शक्त आसा' अशी अहंकाराची भावना रिगता. अर्थांत भक्तांच्या परमार्थांत अशे तरेची अहंकाराची भावना रिगता आसत जाल्यार ती काडून उडोवप हो देवाचो नित्य संकल्प आसता. काशिरामाचेय बाबतींत तेंच घडलें. कांय दिसां उपरांत ताकाच पयशांचो उणाव भासपाक लागलो, आनी म्हाराजांनी तांचे कडेन दक्षणा मागप चालूच दवरलें. 'म्हाराज आयज म्हजे कडेन पयशे नात' अशें व्हडा कश्टांनी तांकां सांगचें पडपाक लागलें. तशें जाल्यार 'कोणा कडल्यान तरी उश्णे मागून हाड आनी म्हाका दी' अशें म्हाराजांनी तांकां सांगचें. ते प्रमाण कांय दीस तांणी उश्णे पयशे हाडप चालूय दवरलें. पूण मुखार तेय मेळना जाले. अर्थांत हें सगलें काशिरामाचो अहंकार काडून उडोवपा खातीर चलिल्लें. आपले भितर 'दिवपाची' शक्त ना, हाची तांकां जाणविकाय जाली तेन्नाच्यान तांची परिस्थिती सुदारपाक लागली आनी ते आदलेच प्रमाण सुखवस्तू जाले. म्हाराजांनी आपले कडल्यान नित्य दक्षणां घेवची ही तांची तळमळूय खंयचे खंय विरगळून गेली.

काशिराम कपडे विकपाचो धंदो करताले आनी वेगळ्या वेगळ्या गांवांनी वचून सप्तकी बाजाराच्या दिसा मांड घालताले.

एकदां नाऊरचो बाजार सोंपोवन ते परत येतले. वाटेर वाटमारी करपी भिल्लांनी तांकां आडायले. काशिराम घोड्याचेर बशिल्ले. ते चोर पयलीं तांचे सरेन गेलेनात. रस्त्यान वचपी हेर गाडयो तांणी आडायल्यो. उपरांत तांची नदर काशिरामाचेर पडली तेन्ना ते थंय धांवून गेले. तांकां लुटपाच्या यत्नांत तांणी कांय सामान झोंबुनूय घेतलें. काशिरामान तांकां कसलोच विरोध केलोना. मुखार चोरांनी तांचे कडेन एक ल्हानशी पिशवी आशिल्ली तिका हात घालो. तातूंत कसलीय तरी मोलादीक वस्त आसतली असो तांचो अदमास आसलो, पूण तातूंत तर फकत साकर आसली. काशिराम हांकां एकदां जानकीदासबाबा नांवाच्या सत्पुरसान मुयांक साकर घालीत वच्चें असो उपदेश केल्लो. तेन्नाच्यान ते सदांच आपले कडेन साकर दवरताले. तेच खातीर ती पिशवी तांकां भोव मोलाची दिसताली. खंयचेच परिस्थितींत ती चोरांक व्हरपाक दिवप ना असो तांणी निश्चेव केल्लो. अचकीत तांची नदर त्या चोरां मदल्या एकल्याच्या हातांतल्यान सकयल पडिल्ले तरसादीचेर पडली. तांणी ती उखल्ली आनी दोन चोरांक मारून उडयले. मात तिसऱ्या चोरान फाटले वटेनच्यान येवन तांचे तकलेर कुराड मारली. तातूंत काशिराम गंभीर जखमी जाले आनी बेशुद्ध जावन पडले. तांकां मरण आयलां आसतलें अशें त्या चोराक दिसलें, म्हणून तो तांकां थंयच सोडून पळून गेलो. मुखार कांय वेळान ते शुद्धीर आयले आनी कांय दिसां उपरांत तांची भलायकीय सुदारली. म्हाराजांचेर पुराय श्रद्धा आशिल्ल्यान तांणी हॉस्पिटलांत वचपाक न्हयकार दिलो आनी आपणाक शिरडीक व्हरात असो आगरो धरलो. ते प्रमाण तांकां थंय व्हेले आनी म्हाराजांचे सांगणे वयल्यान थंयच माधवराव देशपांडे हांचे कडल्यान वखद- विरसद केलें. अर्थांत म्हाराजांचे कृपेनूच काशिराम आदले भशेन भलायकेन घटमूट जाले.

मजगतीं, दोन चोरांक मारून उडोवपाच्या धाडशीपणाक लागून काशिरामाक सरकारा कडल्यान तरसाद इनाम म्हणून मेळ्ळी. काशिराम चोरां कडेन लटाफट करताले त्याच वेळार थंय शिरडींत म्हाराजांनी सामको आकांत करून सोडिल्लो. एकसारकें गाळी संवप, व्हडा व्हडान आरड मारप अशे तरेकवार राग उकतावपी प्रकार तांणी चलयिल्ले. तांची ही कृती पळोवन लागीं आशिल्ल्या

भक्तांनी, म्हाराजांच्या खंयच्या तरी प्रीय भक्ताचेर व्हड संकश्ट कोसळ्ळां, आनी त्या संकश्टांतल्यान ताचें रक्षण करपा खातिरूच म्हाराजांनी हो आकांत चलयला हें ज्युस्त वळखल्लें. घडलेंय तशेंच. चोर व्हड संख्येन आसले. तांचे कडेन हत्यारां आसलीं. तरीय तांच्या चपक्यांतल्यान अशे तरेन काशिराम जितो उरप हाचेर कोणाचोच विस्वास बसचो नासलो. पूण तारप्या मुखार मारप्याचें शाणेपण खंय चलता? आसूं. काशिराम उपरांत आनीक कांय वर्सां जगले आनी शके **१८३०** चे चैत्र शुद्ध एकादशी दिसा अंतरले.

वयर उल्लेख केल्ल्या तिगां मदले म्हाळसापती बरेच दीस आसले. तांकां शके **१८४४** च्या भाद्रपद म्हयन्यांत मरण आयलें. तांचे आनी म्हाराजांचे खूब लागींचे संबंद आसले. म्हाराज सदांच मशिदींत बसताले आनी न्हिदप मात एके रातीं मशिदींत जाल्यार दुसरे रातीं चावडेर आसतालें. म्हाराज मशिदींत न्हिदताले ते रातीं म्हाळसापती उजवाडटा मेरेन म्हाराजां सरेन बसून रावताले. अर्दीमदीं दोगांच्योय इश्टागतीच्यो गजाली चलताल्यो. अशे तरेन दर दुसरे रातीं म्हाराजां वांगडा मशिदींत बसून रावपाची आपली ही परंपरा तांणी मरणा मेरेन चालूच दवरली. ते आदर्श तितलेच निसुवार्थी अशे अधिकारी आसले. तांकां लागून म्हाराजांच्या भक्तांक बरो बोध जातालो आनी नित्य आनंद मेळटालो.

म्हाराज हांगा येत सावन मशिदिंतूच रावपाक लागिल्ले. ती मशीद त्या वेळार सामकी पडींग स्थितींत आशिल्ली. दर दुसऱ्या दिसा ते थंय वयताले. राती कडेन मात मशिदिंतूच रावताले. कोणेंय जेवपाक व्हेले जाल्यार वयताले. लोकांक वखद उपचार सांगताले आनी दितालेय. ते खातीर पयशे घेनासले. इतलेंच न्हय, दुयेंतींची देखरेख सारकी जायना अशें दिसलें जाल्यार स्वता वचून करताले. अशे तरेन म्हाराजांनी थंयच्या कितलेश्याच लोकांची शुश्रूषा केली. मुखार म्हाराजांनी वखदां दिवपाचें बंद केलें आनी फकत आंगारो दिवपाक लागले. आदींय आंगारो दिताले आनी तातूंतल्यान लोकांक गूण मेळटालो.

आपूण आदीं लोकांक वखद उपचार करतालों हे विशीं एकदां म्हाराजांनी ह्या लेखका कडेन उल्लेख केल्लो. ''काका, हांव

आदीं लोकांक वखद उपचार करतालों. (लेखकाक ते काका म्हूण उलो मारताले). मुखार वखदां दिवप सोडलें आनी हरी हरी करपाक लागलों आनी हरी हरी करता करतां हरी मेळ्ळो''.

म्हाराज पयले फावट हांगा आयले तेन्ना थंय देविदास नांवाचे एक साधू आसताले. तांचे सरेन जायत्या फावटीं वेगळे वेगळे साधू येताले. तशेंच रामेश्वर, पंढरपूर आनी दक्षिणे वटेनच्या हेर तिर्थथळांचेर पांयवाटेन वचपी भावीक भक्तांचो हो रस्तोच आशिल्ल्यान बऱ्याच सत्पुरशांचे पांय हांगा वेळावेळार लागताले. अशेच एक **जानकीदास** नांवाचे साधू बरेच दीस थंय आसले. ते बऱ्यांतले अधिकारी आसले अशें सांगतात. तांची आनी म्हाराजांची बरी बसका जाताली. तशेंच नामनेचे **गंगागीरबाबाय** थंय येताले. म्हाराज थंय आयले उपरांत जेन्ना गंगागीर पयले फावट आयले, तेन्ना म्हाराज बांयचेर वचून दोनूय हातांनी दोन कळसुल्यो भरून उदक घेवन येताले. गंगागीरबाबांची तांचेर नदर पडली, तेन्ना तांणी, ''ही मुर्ती हांगा केन्ना आयली? हें एक रत्न. हांची योग्यताय व्हड. हें रत्न तुमकां मेळ्ळें हें तुमचें व्हड भाग्य'', अशें कुशीक आशिल्ल्या लोकांक म्हणलें. उपरांत गंगागीरबाबा म्हाराजांच्या दर्शनाक आयले आनी थंय तांच्यो आपलेपणाच्यो गजाली जाल्यो. महाराजांचे बाबतींत अशेच तरेचीं उतरां अक्कलकोटच्या **आनंदनाथ** म्हाराजांनी काडिल्लीं. हे आनंदनाथ म्हाराज अक्कलकोट स्वामीजींचे (स्वामी समर्थांचे) शिश्य आसले. येवल्या लागीं सावरगांवांत ते एकदां आयिल्ले तेन्ना शिरडीचे **माधवराव** बळवंत देशपांडे, **दगडू** भाऊ गायके, **नंदराम** शिवराम मारवाडी आनी **भागचंद** मारवाडी तांच्या दर्शनाक गेल्ले. दर्शन घेतकच ते शिरडीक वचपाक भायर सरले. तेन्ना अचकीत आनंदनाथ म्हाराज तांचे वटेन धांवत आयले आनी तांचे गाडयेंत बसत, आपुणूय तुमचे वांगडा येतां अशें सांगपाक लागले. नेवरगांवच्या आनी येवल्याच्या लोकांनी तांकां आडावपाचे यत्न केले, पूण सगले फुकट गेले. आनंदनाथ म्हाराज थंय आयिल्ले तेन्ना तांणी म्हाराजां विशीं उतरां काडिल्लीं तीं अशीं, 'हो हिरो. हाचें खरें मोल तुमकां खबर ना. हो कोयरांत बशिल्लो आसलो तरीय प्रत्यक्षांत हो हिरो हें लक्षांत दवरात'. त्या वेळार म्हाराज नामनेक पावूंक नासले आनी गांवांतले लोक तांकां एक सादारण

पिसो फकीर समजताले.

म्हाराजांची स्थिती त्या वेळार ''पोरणें पिंजिल्लें न्हेसता रे। मनांत येत थंय बसता रे । पिसो पिशा भशेन दिसता रे । मात ब्रह्मांडाक गिळून आसता रे।।'' अशीच आसली. म्हाराज केन्ना व्हाळार वचून बसताले, केन्ना गांवचे शिमेर आशिल्ल्या एका निंबाच्या झाडा पोंदा बसताले, केन्ना कोणाच्या मळ्यांत वचून बसताले, आंगा वयले कपडे पिंजिल्ले आसताले, केन्ना केन्ना खर तिडकल्ले भशेन वागताले. तांच्या ह्या असल्या वागण्याक लागून लोकांक ते पिशे कशेच दिसताले. मात लोकांचो हो गैरसमज रोखडोच पयस जालो आनी म्हाराजांची योग्यताय शिरडीच्या लोकांक कळ्ळी. तो प्रकार असो घडून आयलो :-

म्हाराजांक मशिदींत आनी देवळांतूय खूब दिवे लावपाची आवड आसली. अर्थांत आवड आसली अशें म्हणप हें वेव्हारी नदरेंतलें उलोवप. खरेपणीं तांची एकूय कृती ही स्वताची खोस, आवड पूर्ण करपा खातीर नासताली. (कित्याक तर तांकां खोस, उमेद अशी उरुंकूच नासली). तांचे कृतींत एकूच हेत आसतालो तो म्हणल्यार लोकांचें कल्याण. आसूं. ह्या दिव्यां खातीर म्हाराज तेलयांच्या आनी वाणयांच्या घरांनी वचून तेल मागून हाडटाले. कांय दीस तांणी म्हाराजांक तेल दिलें. अर्थांत ते वेव्हारी मनीस कितले दीस म्हणून तेल दितले? कांय दिसां उपरांत तांणी तेल दिवपाक न्हयकार दिलो. मात ते खातीर म्हाराजांच्या दीसपट्ट्या कार्यांत खंड थोडोच पडपाचो आसलो ! म्हाराजांनी पणट्यांनी तेला बदला उदक घालें आनी सदां भशेन वाती घालून काडी मारली आनी त्यो पेटयल्यो. म्हाराज ह्यो उदकाच्यो पणट्यो पेटोवपाची तयारी करताले तें पळोवन लोकांक तांच्या पिशेपणां विशीं खात्री जाल्ली. मात उदक भरिल्ल्यो त्यो पणट्यो पेटपाक लागल्यो आनी रातभर पेटत उरल्यो तेन्ना लोक अजापीत जाले. ते म्हाराजांक शरण गेले आनी म्हाराजांचीं फकांडां, बकच्छायो मारिल्ले खातीर माफी मागपाक लागले. जायत्या जाणांनी म्हाराजांक उण्याअदीक प्रमाणांत छळिल्लेय. तांकां भयान कांपरें भरलें. पूण म्हाराज पूर्ण दयाळू आसले. उपकार करप्यांची लेगीत उपेक्षा करपाची ना, जाल्यार तांचेरूय उपकारूच करपाचे हें म्हाराजांचें ब्रीद! ते खातीर अर्थांतूच कोणाकूच भियेवपाची गरज नासली. म्हाराजांचो

सगल्या लोकांचेर मोग आसलो आनी आपल्या भुरग्यां भशेन ते तांचेर माया करताले. गांवाचेर कसलेंय अरिश्ट येवपाचें आसत जाल्यार ताचे विशीं म्हाराज आदींच लोकांक शिटूक करताले, आनी जे तांच्या सांगण्या प्रमाण वागताले तांचें कल्याणूच जातालें.

सगल्या गांवाची जरी म्हाराजांचेर श्रद्धा बशिल्ली तरीय म्हाराजां कडेन चड लागींपण आशिल्ले थोडेच लोक आसले. म्हाराजांच्या तापट सभावाक लागून तांचे लागीं वचपाचें धाडस सगल्यांकूच जायनासलें. तितली कोणाची कापाझदादूय जायनासली. आनी मशिदींत लोकांचें येवप वचप साप्प उणेंच आसतालें. ह्या वेळार देशपांडे घराण्या मदले माधवराव बळवंत हांचें येवपवचप खासा जावपाक लागलें. मशिदीच्या वाठारांतूच एक ल्हानशें घर आसलें. तातूंत शाळा भरताली. ते शाळेंत माधवराव मास्तर आसले. तांणी वेळावेळार शाळेंतल्यान मशिदींत वचपाची संवय लावन घेतिल्ली. थंय गेले म्हणटकच चिलीम भरून आपणें ओडपाची आनी म्हाराजांक ओडपाक दिवपाची. कसल्याय कारणाक लागून जायना, माधवरावाचें म्हाराजांलागीं लागींपण वाडपाक लागलें आनी माधवराव म्हाराजां कडेन चड चड आकर्शीत जावपाक लागले. मुखार कांय वर्सां उपरांत तांणी आपले सगले धंदे सोडले आनी फकत म्हाराजांची आनी तांच्या दर्शनाक येवपी लोकांची सेवा होच धंदो म्हणून स्विकारलो. हे सेवेचो मोबदलो म्हूण माधवरावान केन्नाच कांय मागलेंना. ते आनी म्हाराजांचे भक्त हांचे मदीं घट संबंध आसले आनी बऱ्याच जाणांक आदारूय दिसतालो. बरेच भक्त कसलीय अडचण आयली जाल्यार माधवरावांचो सल्लो घेतले बगर मुखार वचनासले.

म्हाराज शिरडी सोडून चडशे खंय वचनासले. मात केन्ना केन्ना निमगांवाक **बाबासाहेब** डेंगळे ह्या नांवाचे भक्त आसले तांगेर वताले जाल्यार केन्नाय एकदां राहता गांवांतल्या चंद्रभानशेट मारवाडी हांगेर वताले. **चंद्रभानशेट** अंतरले उपरांत तांच्या पसऱ्याचो वेव्हार **खुशालचंदशेट** पळयताले. ह्या खुशालचंदर्जीक म्हाराज परत परत आपोवणें धाडटाले आनी केन्नाय राहात्याचो कोणूय मनीस आयलो जाल्यार ताचे कडेन खुशालचंदाची खबर घेताले. आसूं.

**बाबासाहेब** डेंगळेचो भाव **नानासाहेब** डेंगळे जाळी -निमगांव वाठारांत रावतालो. तांकां पूत नासलो. पयलीं घराब्यांत पूत

जल्माक येना म्हणून ते दुसरे खेपे लग्न जाले. तरीय कांयच उपेग जालोना. मागीर बाबासाहेबान तांकां म्हाराजांच्या दर्शनाक धाडले. नानासाहेब डेंगळे म्हाराजांच्या दर्शनाक आयले तेन्ना तांकां पूत जातलो असो आशिर्वाद दिलो आनी त्या आशिर्वादाचे सासायेन योग्य वेळार तांकां पूत जालो. अर्थांतूच तातूंतल्यान नानासाहेबांची म्हाराजां वयली श्रद्धा आनिकूय घट जाली. ते खातीर ते परत परत म्हाराजां सरेन येवपाक लागले. तांचें सरकारी कर्मचाऱ्यां कडेन येवप -वचप आशिल्ल्यान साहजिकूच तांणी म्हाराजांचे गूण त्या कर्मचाऱ्यांच्या मुखार गायले. ताका लागून रोखडेच जिल्ल्याधिकाऱ्याचे सचीव **चिदंबर** केशव म्हणल्यारूच अण्णासाहेब गाडगीळ कांय लोकांक घेवन म्हाराजांच्या दर्शनाक आयले. अण्णासाहेब गाडगीळांची म्हाराजां वयली श्रद्धा दीसपट्टी वाडतच वचून ते म्हाराजांचे पूर्ण भक्त जाले.

म्हाराज जे मशिदींत बसताले आनी न्हिदताले ती सामकी मोडपाक आयिल्ली. सकयल कोयर आनी वयल्यान माती पडटाली अशी स्थिती आशिल्ल्यान नानासाहेब डेंगळे हांणी म्हाराजांक न्हिदपा खातीर म्हूण एक दाट फळी हाडून दिली. म्हाराजांनी निखटे जमनीचेर न्हिदनासतना ती फळी घालून तिचेर न्हिदचें हो तांचो हेत आसलो. म्हाराजांनी ते फळयेचो उपेग न्हिदपा खातीर केलो, पूण प्रकार वेगळोच केलो. ती फळी जमनीर घालिनासतना पोरण्या कपड्यांच्यो दोरयो करून मशिदीच्या आड्याक ती फळी झोपाळो कशी लोंबयली आनी तिचेर न्हिदपाक लागले. तांणी दोरयो म्हण बांदिल्लीं बोंदरां पळयत जाल्यार ते फळयेचें लेगीत वजन तीं घेवचीं नात अशें दिसतालें, पूण म्हाराजांचे सासायेक लागून ते फळयेचेंच न्हय जाल्यार म्हाराजांचे कुडीचेंय वजन तीं घेवपाक लागलीं. म्हाराज न्हिदतना आपल्या चारूय वटयां चार पणट्यो पेटोवन दवरताले. ते फळयेर न्हिदिल्ल्या म्हाराजांक पळोवपाची दरेकल्याक उमळशीक लागताली. अजापीत जावन ते तांकां पळयताले. मात अजाप म्हणल्यार म्हाराजांक ते फळयेचेर चडटना वा देंवतना कोणेंच केन्नाच पळयलेनात. कितल्याश्याच जाणांनी लिपून रावून तांकां फळयेचेर चडटना पळोवपाचे यत्न केले पूण कोणाकूच येस आयलेंना. कांय दिसां उपरांत हो प्रकार पळोवपा खातीर लोकांची गर्दी जमपाक

लागली, तेन्ना एका दिसा म्हाराजांनी ती फळीच काडून उडयली.

ज्या कारणा खातीर **नानासाहेब** डेंगळे पयले फावटीं म्हाराजांच्या दर्शनाक आयिल्ले, त्याच कारणा खातीर कोपरगांवाचे क्षेत्र निरिक्षक **गोपाळराव** गुंड हेय दर्शनाक आयिल्ले. तांकां तीग घरकान्नी आसूनय पूत नासलो. म्हाराजांचे कृपेन तांच्याय घराब्यांत पूत जल्माक आयलो. ताका लागून तेय म्हाराजांचे पूर्ण भक्त जाले. एकदां तांच्या मनांत मोडपाक पाविल्ली ती मशीद आपणें परत बांदची असो विचार आयलो. ते प्रमाण तांणी बरेचशे फातर एकठांय केले. पूण म्हाराजांनी तांकां ती मशीद बांदपाक मान्यताय दिलिना. तें काम दुसऱ्या एका भक्ता कडल्यान करून घेवपाचें आसलें. तो प्रसंग मुखार सांगला. गोपाळरावान जमयिल्ल्या फातरांचो उपेग म्हाराजांचेच आज्ञेन थंयचें शनीचें देऊळ बांदपा खातीर आनी दुसऱ्या एका देवळाचो जिर्णोद्धार करपा खातीर केलो.

म्हाराजांचें लक्ष सगल्या देवळां कडेन आसतालें. थंयच्या मारुतीच्या देवळाचोय जिर्णोद्धार म्हाराजांनीच करून घेतलो आनी त्या देवळाचो आकारूय वाडयलो. जे प्रमाण गांवांतल्या देवळां कडेन म्हाराजांचें लक्ष आसतालें तेच भशेन पिरां कडेनूय तांचें लक्ष आसतालें. गांवचे शिमे लागीं आशिल्ल्या निंबाच्या झाडा पोंदा म्हाराज केन्ना केन्ना बसताले असो उल्लेख वयर आयला, थंयच एका पिराचें थडगें आसा अशें म्हाराजांनी एकदां सांगलें. थंय खणून पळयल्यार खरेंच थंय तें थडगें आसलें. त्या दिसा गांवच्या लोकांनी म्हाराजांची वाजयत गाजयत मिरवणूक काडली. त्या थडग्या विशींचो उल्लेख म्हाराजांनी ह्या लेखका कडेनूय केल्लो. म्हाराजांनी सांगिल्लें, ''हो जागो म्हज्या वडिलांचो. थंय बिरेस्तारा आनी शुक्रारा ऊद पेटयात, तातूंतल्यान तुमचें कल्याण जातलें''. एकदां गोपाळराव गुंडाच्या मनांत, हांगा म्हाराजां खातीर जात्रा आनी उरूस आयोजीत करचो असो विचार आयलो. तो विचार तांणी गांवांतल्या लोकां कडेन उलोवन दाखयलो. **तात्या** पाटील, **दादा** कोते पाटील, **माधवराव** देशपांडे हांचे कडेन तांणी चर्चा केली. तो विचार तांकांय पटलो. ते प्रमाण तांणी तयारी सुरू केली. पूण तेन्ना थंय आशिल्ल्या कुलकर्ण्यान तांकां

विरोध केलो. ताचो परिणाम बरोच खर जालो. जिल्ल्याधिकाऱ्यान जात्रा आयोजीत करची न्हय असो आदेश दिलो. पूण जात्रा आयोजीत करपाक म्हाराजांचो पूर्ण आशिर्वाद आसलो. ताका लागून वयल्या मानेस्तांनी परत एकदां जिल्ल्याधिकाऱ्या कडेन अर्ज सादर केलो. ताचेर तांणी आपलो आदलो आदेश रद्द थारावन जात्रा आयोजीत करपाक मान्यताय दिवपी पत्र दिलें. म्हाराजांचे आज्ञे प्रमाण ती जात्रा रामनमीक आयोजीत करपाचें थारलें. तेन्नाच्यान ती सुरू जाली आनी फुडें दर रामनमीक भरपाक लागली.

हे जात्रेची वेवस्था सुरवाती सावनूच शिरडीचे **तात्या** गणपती पाटील कोते हे पळयताले. म्हाराजांचो तांचेर भोव मोग आसलो. म्हाराजांक ते 'मामा' म्हणटाले. तांची आई, सौ. **बायजाबाई** हांणीय म्हाराजांची व्हड भक्तीन सेवा केली. गांवांतलो भोवजनसमाज म्हाराजांक पिश्यांत काडटालो अशा वेळार तांणी ही सेवा केली. म्हाराज आदीं दिसांतल्यान चार -पांच फावटीं गांवांत भिक्षा मागपाक भोंवताले. मात बायजाबाईन तांकां केन्नाच रित्या हातांनी परत धाडलेनात. अर्थांत ते सेवेचें फळ बायजाबाईंक मेळ्ळेंच. तांचे वांगडाच तांच्या संपूर्ण घराब्याक आनी खास करून तात्याक मेळ्ळें. तात्यांक म्हाराज पयशे दिताले इतलेंच न्हय तर तांचे सगल्या तरांनी लाडूय करताले. सदांच सांजवेळार तात्या म्हाराजां कडेन वताले तेन्ना ते मामा -भाचो हांचे मदीं जे मायेन आनी आपलेपणान जो संवाद जातालो तो पळोवपा सारको आसतालो. तांचें उलोवपूय आयकुपा सारकें आसतालें. मशीद आनी चावडे वयली सगली वेवस्था तात्या कडेनूच आसताली. तात्यान येवन उठयले बगर म्हाराज उठनासले. तात्यान स्वता आसन घालप आनी म्हाराजांच्या हाताक धरून व्हरून ताचेर बसोवप अशें सदांच चलतालें. चिलीम पसून तात्याच भरून दिताले.

रामनमीचे जात्रे वेळार म्हणल्यार खुद्द रामनमीच दिसा दोन व्हड निशाणांची आगळी मिरवणूक काडून मशिदींत वताले. थंय तीं दोन निशाणां दोन तोंकांक बांदताले. तांचे मदलें एक निशाण रा. **शंकरराव** रघुनाथ देशपांडे म्हणल्यारूच नानासाहेब निमोणकर हांचे कडल्यान येतालें जाल्यार दुसरें नगरचे **दामूशेट** कांसार हांचे कडल्यान येतालें. नानासाहेब निमोणकर हे निमोणचे

देशपांडे आसले. निमोण हो गांव संगमनेर म्हालांत आसा. त्या म्हालांत नानासाहेब म्हणल्यार एक फुडारी आशिल्ले. ते खातीर सरकारान तांकां मानद न्यायदंडाधिकारी म्हूण नियुक्त केल्ले. कितलीशींच वर्सां तें काम तांणी केलें. अखेरेक म्हातारपणाक लागून तांणी तें काम सोडलें. तांचो चुलतो थंयच रावतालो. तोय केन्ना केन्ना येतालो. थंय चुलत्यागेर येतकच तांच्याच सांगण्या वयल्यान ते म्हाराजांच्या दर्शनाक येताले. हळू हळू तांची म्हाराजांचेर श्रद्धा वाडत गेली आनी अखेरचीं तीन वर्सां तांणी म्हाराजांचे अखंड सेवेंतूच घालयलीं. फकत न्हावप धुवप हे सारक्या दीसपट्ट्या कामां पुरतेच ते घरा वताले आनी हेर सगलो वेळ म्हाराजांचे सेवेंतूच रावताले. साठ वर्सां पुराय जाल्लीं तरीय म्हाराजांची सेवा करतना केन्नाच आळस आयलोना वा सुसेग घेवपाचो विचार तांच्या मनांत आयलोना. महाराज तांकां 'काका' म्हूण उलो मारताले. म्हाराजां फाटल्यान तेय चड दीस रावलेनात. रोखडेच म्हाराजांनी तांकांय आपल्या चरणां कडेन व्हेले. म्हाराजांचे कृपेन तांकां सुखान मरण आयलें. निमाणे तीन दीस तांकां जंय थंय फकत म्हाराजूच दिसताले. जो लागीं येतालो ताका ते साईबाबा (म्हाराजांक 'बाबा' म्हणटाले अशें वयर सांगलांच) म्हणटाले. आपले घरकान्नीक पसून ''येयात साईबाबा'' अशेंच म्हणपाक लागले. तांकां कसलो तरी भास जाला अशें तिका दिशिल्ल्यान तिणें तांकां 'आपूण बाबा न्हय, तुमची घरकान्न' अशें सांगलें. ताचेर तांणी, ''तुज्यांत कोण, बाबाच आसा, तूंय बाबाच'' अशें म्हणलें. अशे तरेन म्हाराजांच्या अखंड स्मरणांतूच तांचो अंत जालो.

रामनमी वेळार दुसरें निशाण **दामोदर** सावळाराम म्हणल्यारूच दामूशेट कांसार हांचे कडल्यान येता हें वयर सांगिल्लेंच आसा. ह्या दामोदराक दोगी घरकान्नी आसल्यो. मात एकलेकूय चलोभुरगो नासलो. ताका लागून ते सदांच दुख्खी खंती आसताले. एकदां माधवराव देशपांडे हांचो मांव **गोविंदराव** सापकर हांणी तांकां हांगा येवन म्हाराजांचो आशिर्वाद घेवचो अशें सुचयलें. ते प्रमाण ते आयले. म्हाराजांनी आशिर्वाद दिलो. त्या आशिर्वादान तांगेर पूत जालो. अर्थांत म्हाराजांचेर तांची श्रद्धा बसली. तेन्नाच्यान रामनमीक नवीन निशाण हाडप तशेंच थंय फकीर जमिल्ले आसल्यार तांकां सगल्यांक जेवपाक वाडप हो नेम

तांणी धरलो. तो नेम अजुनूय चालू आसा.

रामनमीची जात्रा सुरू जावचे आदीं कांय वर्सां म्हाराजांनी आपल्या एका भक्ताक आपोवन हाडिल्लो. तो भक्त म्हणल्यार रा. **नारायण गोविंद** म्हणल्यारूच **नानासाहेब** चांदोरकर. ते कल्याण वाठारांत रावपी. त्या वेळार ते नगरच्या जिल्ल्याधिकाऱ्याचे सचीव आसले. एका दिसा तांकां थंयचो कुलकर्णी **केशव** अनंत म्हणल्यारूच **आप्पा** हांणी, ''म्हाराजांनी तुमकां आपयल्यात'' असो रकाद दिलो. नानासाहेबांक आप्पाचें तें सांगणें सुरवातीक खरेंच दिसलेंना. तांणी तांकां, ''बेठेंच म्हाराजांचें नांव कित्याक सांगता? म्हजे कडेन तुजें कसलेंय काम आसत जाल्यार सांग'' अशें म्हणलें. ताचेर आप्पान तांकां म्हाराजांनी खरेपणींच आपयल्यात अशें सांगलें. ताका लागून नानासाहेब म्हाराजांच्या दर्शनाक आयले आनी रोखडीच तांची तांचेर श्रद्धा बसली. उपरांत ते सेगीत थंय येवन म्हाराजांच्या बोधामृताचो लाभ घेवपाक लागले. महाराजां कडेन तांच्यो वरांची वरां बसका जाताल्यो. ''तद्विद्धि प्रणिपातेन परिप्रश्नेन सेवया । उपदेक्ष्यंति तेऽज्ञानं ज्ञानिनस्तत्त्वदर्शिनः॥'' हे श्रीभगवद् उक्ती प्रमाण नानासाहेबांची प्रणिपात, परिप्रश्न आनी सेवा आसताली आनी म्हाराज तांकां उपदेश करताले. एकदां म्हाराजांनी ह्या श्लोकाचें वरभर विवेचन केल्लें. त्या विवेचना वयल्यान म्हाराजांक संस्कृत भास बेसबरी कळटा हाचे विशीं नानासाहेबाची खात्री जाल्ली. नानासाहेबान तळमळीन आनी उत्तम तरेन म्हाराजांची सेवा केली. तातूंत चड करून दोन गजालीं खातीर ते म्हाराजांच्या भक्तांचे सदांच यादींत उरतले. एक म्हणल्यार म्हाराजांची पोरणी मशीद मोडून तांणी परत बांदली आनी तिचो आकारूय वाडयलो. हें काम करून घेवपाक नानासाहेबा कडेन जाय तितलो वेळ नासलो. ताका लागून तांणी नानासाहेब निमोणकर हांकां तिचेर देखरेख करपाची विनवणी केली आनी तिका मान दिवन निमोणकरांनीय तें काम खोसयेन आनी उत्तम तरेन केलें. म्हाळसापतीचे मध्यस्तीन तांणी म्हाराजां कडल्यान मशीद बांदपाक मान्यताय मेळोवन घेतली. तरीय आसतना म्हाराज वेळावेळार थंय येवन तें काम मोडून उडयताले तशेंच व्हड व्हड फातर आनी हेर साहित्य आपल्या हातांनी भिरकटावन मारताले. उपरांत तें काम परत सुरू जातालें.

म्हाराजांचें हें कृत्य हेर लोकांक चमत्कारीक दिसतालें, पूण ताचे फाटलो अंतस्थ हेत जांकां खबर आसा, तांकां हे कृतीचें अजाप अशें दिसचें ना. शेवटाक एकदाचें मशिदीचें काम पूर्ण जालें. त्या दिसा म्हाराज निमगांवांत गेल्ले आसतना थंयच्यान तांकां वाजयत गाजयत मिरवणुकेन हाडून मशिदींत बसयले. हे मशिदीचें काम करपाक थंयचे मेस्त **कोंडाजी, गबाजी आनी तुकाराम** हे तिगूय भाव बरेच उपेगाक पडले. म्हाराजांच्या निर्वाणा मेरेन मशिदींत सान्न मारप, म्हाराजांचीं आयदनां घांसप, म्हाराजांचें तोंड धुवपाचें उदक तापोवन दिवपाचें हे सारकीं सगलीं कामां तुकारामूच करतालो. म्हाराज सोंपेपणीं हीं कामां दुसऱ्या कोणाकूच करपाक दिनासले. आयजूय रामनमीची मिरवणूक ह्या मेस्ताच्या घरा कडेन सुरू जावन थंयच्यानूच मुखार वता.

म्हाराजांची व्हडवीक आनी कीर्त सगल्याक पातळची म्हूण तिचो प्रसार करप आनी म्हाराजांच्या आशिर्वादाचो लाभ सगल्यां लोकांक करून दिवप ही नानासाहेबांची दुसरी व्हड आनी मोलाची अशी कामगिरी. आदीं ते मामलेदार आनी उपरांत उपजिल्ल्याधिकारी आशिल्ल्यान तांकां बरेंच भोंवचें पडटालें. ते भोंवडे वेळार ते जंय जंय वताले थंयच्या लोकां कडेन म्हाराजांची कीर्त सांगपी उलोवप करताले. तातूंतल्यान लोकांक म्हाराजांचें दर्शन घेवपाची उमळशीक लागताली. ह्या लेखकाक पसून म्हाराजांच्या दर्शनाचो लाब मेळोवन दिवपी नानासाहेबूच आसले. मुंबय आनी ठाणें ह्या जिल्ल्यांतले हजारांनी लोक म्हाराजांचें दर्शन घेवन खोशी जाले तेय नानासाहेबांच्याच यत्नांक लागून. मुंबयच्या लोकां मदीं म्हाराजां विशीं उमळशीक निर्माण करपाच्या ह्या वावरांत आनीक दोग मनशांचो हात भार लागलो. तांचे मदले एक म्हणल्यार **गणेश** दत्तात्रय सहस्त्रबुद्धे म्हणल्यारूच **दासगणू** हे आसले. आदीं ते पुलीस खात्यांत कामाक आसले. तांकां तमाशांक वचपाचो भोव शौक आसलो. नानासाहेबांक लागून ते म्हाराजांच्या दर्शनाक आयले. हळू हळू तांच्या मनांत म्हाराजांच विशींची भक्ती वाडत गेली आनी तातूंतल्यान एका दिसा तांणी आपली नोकरीच सोडली आनी संतचरित्राचो किर्तनान तशेंच ग्रंथरुपान लोकां मदीं प्रसार करपाचो उपक्रम सुरू केलो. तांणी हालींच्या काळांतले **भक्तलिलामृत, संतकथामृत, भक्तिसारामृत** हे संतचरित्राचे ग्रंथ बरयले. ते भायर ईशावास्योपनिषद

आनी श्रीज्ञानेश्वरमहाराजांचा अमृतानुभव ह्या दोन ग्रंथांचें मराठींत रोसाळ आनी बोध जावपी अशें स्पश्टीकरण, विवेचन केलां. ते भायर तांचे आनिकूय ग्रंथ आसात. नानासाहेब चांदोरकरांनी तांकां मुंबयंत व्हरून तांच्या भक्तिरसान भरिल्ल्या किर्तनांचो आनी ते उदेशीं म्हाराजांचे गूण आनी व्हडविकेचो अणभव मुंबयकारांक करून दिलो. तांच्या किर्तनांक लागून मुंबय आनी भोंवतणच्या वाठारांतल्या कितलेश्यांच लोकांक म्हाराजांच्या दर्शनाक येवपाची उमळशीक लागली आनी बरेच जाण येवनूय गेले. वयर म्हणिल्ल्या दोग मनशां मदली दुसरी व्यक्ती  म्हणल्यार हो लेखक. हांचेंय ह्या काळांत म्हाराजांच्या पांयां कडेन रावप वाडत गेल्ल्यान मुंबयचे भौशीक चळवळींतल्यान ते आपसुकूच पयस जाले आनी ते बाबा (म्हणल्यार वैरागी, संन्याशी बी) जाल्यात अशें पारशी आनी हेर खबरांपत्रांतल्यान छापून आयिल्ल्यान, जांकां लागून ते अशे जावपाक पावले तांचें दर्शन घेवपा खातीर म्हणून बरेच लोक येवपाक लागले. एकंदरींत **१९१०** पसून म्हाराजांच्या दर्शनाक येवपी लोकांचो आंकडो बरोच वाडत गेलो.

नानासाहेब चांदोरकर हांगा आयले त्या काळांत दर्शनाक येवपी भाविकां खातीर राबित्याची अशी वेवस्था नासली. म्हाराजांनी तो उणावूय रोखडोच भरून काडलो. ह्या वाठारांत उपजिल्ल्याधिकारी म्हणून रावबहादूर हरी विनायक साठे हे गृहस्थ आशिल्ले. तांचे घरकान्नीक मरण येवन बरेच दीस जाल्ले. पूण उपरांत दुसरे खेपे लग्न जावचें अशी इत्सा तांकां जावंक नासली. मात तांकां भुरगें नाशिल्ल्यान तांणी दुसरे खेपे लग्न जावचें असो आगरो तांच्या इश्टांनी धरिल्लो. अखेरेक म्हाराजांचें दर्शन घेवन ते सांगतले तशें करप अशें थारलें. ते प्रमाण ते दर्शनाक आयले. म्हाराजांनी लग्न जावपाक आज्ञा दिली आनी पूत जातलो असो आशिर्वादूय दिलो. रावबहादूरान चली पसंत केली आनी तिका म्हाराजांच्या दर्शनाक घेवन येवचें अशें तिचो बापूय गणेश दामोदर केळकराक कळीत केलें. ते प्रमाण ते धुवेक घेवन ते थंय आयले तेन्ना म्हाराजांनी एक फळ तिचे व्हंटयेंत घालें आनी तिका कुकूम लायलो. मुखार योग्य वेळार लग्न जालें आनी उपरांत रोखडेंच म्हाराजांचे सुचोवणे प्रमाण तांणी वयर उल्लेख केल्ल्या लिंबाचें झाड आशिल्लें त्या वाठारांत जागो विकत घेवन थंय एक घर बांदलें. ताका लागून दर्शनाक येवपी भाविकांची राबित्याची वेवस्था

जाली. मुखार तीन वर्सां उपरांत म्हाराजांनी ह्या लेखका कडल्यान आनीक एक घर बांदून घेतलें. तशेंच, उपरांत नागपूरचे गिरेस्त **गोपाळराव** म्हणल्यारूच **बापुसाहेब** बुटी हांचे कडल्यान आनीक एक घर बांदून घेतलें. हें घर व्हड आकाराचें आनी पुरायेन फातरांनी बांदिल्लें गडगंज अशें आसलें. ताका खर्चूय बरोच आयलो. शिरडीच्या वाठारांत वा संपूर्ण म्हालांत इतलें व्हड घर आसत अशें दिसना. ह्याच घरांत म्हाराजांची समाधी आसा.

रोखडेंच शिरडीक संस्थानाचें रूप येवपाक लागलें. म्हाराजांची आरती जावंक लागली आनी आरतीच्या वेळार तरंगां, चंवऱ्यो, अब्दागिरां म्हाराजांचेर दिसपाक लागलीं. म्हाराज चावडेंत वतना घोडो, पालखी, अब्दागिरां, भजनकार मंडळी हांच्या सांगातान शाही पद्दतीन वाजयत गाजयत वचपाक लागले. हारशे, झुंबरां, फोटे अश्या साहित्यान चावडी सजपाक लागली. चावडेक आनी मशिदिकूय लादयो घाल्यो. ह्या सगल्यांचें श्रय चड करून स. **सुंदराबाई** क्षिरसागर म्हणल्यारूच **राधाकृष्णाआई** हांकां वता. तांचे कडेन धन नासलेंच, पूण आपलें तन आनी मन तांणी पुरायेन म्हाराजांच्या चरणांचेर ओंपिल्लें. तशेंच वेगळ्यावेगळ्या भक्तां कडल्यान तांणी वेगळ्यावेगळ्यो वस्तू हाडून शिरडी संस्थानाची सोबाय वाडयिल्ली. मात दुर्दैवान तांचो अवतार सामको उणो म्हणल्यार पिरायेच्या **३५** व्या वर्साच सोंपलो ! त्यो थंय आठ-णव वर्सां आसल्यो. पूण तितल्याच काळांत तांणी जें कार्य केलें तें दुसऱ्या कोणाकूय पंचवीस वर्सां मदीं लेगीत करप शक्य जायत आसलें काय कितें हाचे विशीं दुबाव मारता. हे आईक लागुनूच चावडेर राती वेळार म्हाराजांची शेजारती आनी फांतोडेर कांकड आरती सुरू जाली. म्हाराज सुरवातीच्या काळांत स्वताची पुजा लेगीत करपाक दिनासले. पयली पुजा तांणी म्हाळसापती कडल्यान घेतली. उपरांत कांय दिसांनी निमगांवचे **सीताराम** डेंगळे पुजा करपाक आयले तेन्ना म्हाराज तांचेर तिडकले. पूण अखेरेक तांकां पुजा करपाक दिली. उपरांत कांय दिसांनी नानासाहेब चांदोरकराचो धाकलो पूत **महादेव** म्हणल्यारूच **बापू** हाका खोसयेन पुजा करपाक दिली. ताचे उपरांत सगल्यांकूच पुजा करपाक मेकळीक मेळ्ळी. पूण त्या वेळार म्हाराज आपली आरती करपाक दिनासले. कांय दिसां उपरांत पयली आरत करपाचो मान

**लक्ष्मण** कृष्णाजी म्हणल्यारूच **तात्यासाहेब** नूलकर हांकां मेळ्ळो. ते पंढरपूरचे दिवाणी न्यायाधीश आसले आनी दुयेंत पडिल्ल्यान रजा घेवन हांगा आयिल्ले. पूण मनांत मात, आतां नोकरी सोडून उरिल्ली जीण म्हाराजांच्या पांयां कडेन घालोवप हीच इत्सा आसली. अखेरेक तशेंच घडलें.

**राधाकृष्णाआई** स्वता सगल्या तरांची सेवा करताल्यो. त्यो दीसपट्ट्यो दोन फावट म्हाराजांची येवपा वचपाची वाट झाडून निवळ करताल्यो. अर्थांत थंयची सगली हळशीक स्वता काडटाल्यो. हो क्रम तांचे आदीं बाळाजी पाटील नेवासकर हांणी सुरू केल्लो. पुरायेन विरक्त असो हो भक्त संवसाराचेर उदक सोडून हांगा येवन राविल्लो. तांकां परत व्हरपा खातीर म्हूण जायते लोक आयले, पूण ते गेलेनात. ते सदांच रस्ते सान्न मारून नितळ करप, मशीद निवळ करप हे सारकीं कामां करताले. म्हाराजांचें पयसुल्ल्यानूच दर्शन घेताले. लागीं येनासले. उदक पियेताले तेंय म्हाराजांचें पांयांचें तीर्थ नाजाल्यार न्हावप जातालें तेन्ना म्हाराजांच्या आंगा वयल्यान पडिल्लें उदक वा म्हाराजांनी पियेवन उरिल्लें उश्टें उदक ते पियेताले. शेताचें उत्पन्न आयलें म्हणटकच सगलें व्हरून म्हाराजां कडेन दिताले आनी तातूंतल्यान म्हाराज दितात तितलें घेताले. अर्थांत, म्हाराज सगलेंच परतें दिताले. अशे तरेन दोन वर्सां थंय रावले उपरांत म्हाराजांनी बाळाजी पाटलाक ताच्या घरा वचपाविशीं आज्ञा केली. ते प्रमाण ते गेले. तरीय आसतना सेगीत दर्शनाक येताले आनी आपली सगली येणावळ म्हाराजांक ओंपताले. मुखार कांय वर्सांनी तांकां मरण आयलें.

**राधाकृष्णाआई** स्वता सगल्या तरांची सेवा करताल्यो, इतलेंच न्हय तर त्यो म्हाराजांच्या भोवतेक भक्तां कडल्यान म्हाराजांची सेवा करून घेताल्यो. त्यो वेगळींवेगळीं कामां करताल्यो आनी तातूंत सगल्यांक वांटेकार करून घेताल्यो. भक्तूय तातूंत मोगान आनी खोसयेन वांटेकार जाताले. तांचे मदीं सगल्या दर्ज्यांचे दादले आनी बायलोय आसताल्यो. माती -फातर हाडप, रस्ते नितळ करप, फोंडकुलां मारप आनी भरप, झाडां रोवप, लांकडां फोडप, दिवे -झुंबर पुसप -निवळ करप, मशीद धुवप

-रंगोवप, कागदाचीं फुलां करप, चंवरी -माचूल, अब्दागीर -निशाण धरप, निशाणां शिंवप हे सारकीं जायतीं कामां व्हड व्हड मनीस आनी गिरेस्त घराण्यांतल्यो अस्तुऱ्यो पसून व्हड खोसयेन करताल्यो आनी आपल्याक ही सेवा करपाची संद मेळ्ळी म्हूण धादोशी जाताल्यो.

म्हाराजांचो नित्यक्रम खरपणान पाळप जातालें. फांतोडेर उठून ते धुनी लागीं बसताले. उपरांत कांय वेळान दीसपट्टे विधी जातकच कांय खीण ध्यानस्थ बसताले. तितल्या वेळांत **भागोजी** शिंदे ह्या नांवाचो मनीस येवन म्हाराजांच्या उजव्या हाताक पटे आसताले ते सोडोवप, हात पोशेवप आनी पुराय आंग चेपप, उपरांत चिलीम भरून ती पेटोवप आनी म्हाराजांक ओडपाक दिवप बी असलीं कामां करतालो. ही चिलीम उपरांत म्हाराज ताका ओडपाक दिताले. अशें पांच-स फावटीं जातकूच भागोजीन वचपाचें. ह्या भागोजीक महारोग जाल्लो. तरीय म्हाराजांक केन्नाच ताची वीट दिसली ना वा तांणी ताका पयस केलोना. भागोजी गेले उपरांत म्हाराज कांय वेळ बसताले. त्या वेळांत भक्तमंडळी येवन तांची सेवा करताली, उपरांत म्हाराज तोंड धुवपाक उठ्ठाले. म्हाराजांचें तोंड धुवप पळोवपा सारकें आसतालें. हातांचेर, पांयांचेर, तोंडाचेर, कानांचेर भरपूर उदक घालून ते भाग नाजूकपणान घांसून पुसून नितळ निवळ करताले.

**श्री एकनाथ** म्हाराजांनी वर्णन केल्ले प्रमाण **''रोम रगडतील संपूर्ण । यालागी न करी अंगमर्दन । एवं स्वदेहाचें देहपण । भूतहिंसेभेणें अहंत्वा नाणी।''** (ए. भा. अं. ३ ओंवी ४५८) असोच प्रकार न्हावपाच्या वेळार घडटालो. तोंड धुवन जातकच म्हाराज गांवांत भिक्षा मागपाक वताले. भिक्षे खातीर ज्युस्त पांच सुवातांचेर वचून एके कडेन उबे रावताले. भाकरी आनी तोंडाक लावपाक जें कितें मेळटालें तें घेताले, आनी उपरांत मशिदींत आयले म्हणटकूच तातूंतलें थोडेंशें खाताले. खातकूच थोडो वेळ बसताले. त्या वेळार बरेच भक्त थंय जमताले आनी म्हाराज तांकां काणयांच्या रुपान बोध करताले. केन्ना केन्ना ह्याच बसकांच्या वेळार केळीं, पेरां, आंबे विकत घेवन म्हाराज त्या लोकांक वांट्टाले. बऱ्याच फावटीं आपल्या हातांनी केळीं सोलून,

पेरांचे कुडके करून जावं आंबे मोव करून दिताले. ही बसका जातकच म्हाराज व्हाळार वयताले. थंय सुमार वरभर रावताले आनी परत येवन दनपारां दोन वरां जायसर मशिदींत रावताले. तितल्या वेळांत भक्तां कडल्यान म्हाराजांची पुजा, आरती जाताली. उपरांत म्हाराजांचें जेवण जातकूच म्हाराज परत व्हाळार वताले. थंयच्यान सुमार पावूण वरान परत येताले आनी सांजवेळ जायसर मशिदींत बसताले. सांजे कांय खीण भायर भोंवून येताले आनी रोखडेच परत येवन मशिदींत बसताले. दिसांतल्यान सादारण तीन बसका जाताल्यो. पयली सकाळीं फराळ करतकूच, दुसरी व्हाळा वयल्यान येतकूच, आनी तिसरी सांजे पांच वरांच्या अदमासाक जाताली. तिनूय बसकांच्या वेळार म्हाराज काणयांच्या रुपान बोध करताले. म्हाराजांच्या उलोवपांतल्यान त्या वेळार थंय आशिल्ल्या वेगळ्यावेगळ्या भक्तांच्या मनांत घोळपी वेगळेवेगळे दुबाव पयस जावन प्रस्नांच्यो जापो आपसुकूच संबंदितांक मेळटाल्यो. म्हाराज कठीण अशा वेदान्त विशयाची विस्कटावणी करिनासले वा उपनिषदांचेर प्रवचनां दिनासले. तांचो उपदेश चड करून नितीक आसतालो. शिश्याची भुमिका शुद्ध करून उपरांत तातूंत ज्ञानाचें बीं रोवपाचें ही सद्गुरूची शास्त्रोक्त वयवाट. म्हाराजूय तशेंच करताले. तेच खातीर तांचो उपदेश सर्वसादारण नितीतत्वांचोच आसतालो. पूण ह्या फकत उतरांच्या बोधा परस कितलेश्याच पटींनी मोलादीक असो अणभवांच्या रुपान दिल्लो बोध महाराजां कडल्यान मेळटालो, आनी तेच खातीर म्हाराजां कडेन श्रद्धेन येवपी भक्तांचे जिणेचें सार्थक जातालें.

मनांत कसली तरी इत्सा दवरून म्हाराजां कडेन येवपी भक्तांचें प्रमाण व्हड आसलें. मात म्हाराजूय तांच्या मनांतलें वळखून तांच्यो इत्सा आपसूक पुराय करताले. अशे तरेन त्या मनशाक सदां खातीर आपले भक्तीची गोडी लायताले. सदां खातीर ताका आपलो करून घेताले. म्हाराजांचो अवतार लोकांच्या उद्धारा खातिरूच आसलो. तातूंतल्यान तांणीय सगल्यांचें कल्याणूच केलें हाचे विशीं मात्तूय दुबाव ना. तांच्या लिलांचें आनी गुणांचें वर्णन करप शक्यताये भायलें.

**यो वा अनंतस्य गुणाननंताननुक्रमिष्यन् स तु बालबुद्धिः। रजांसि भूमेर्गणयेत्कथंचित्कालेन नैवाखिलशक्तिधाम्नः॥**

अशें आसलें तरीय शक्य जातात तितल्यो तरी म्हाराजांच्यो लिला लिखीत रुपांत आयल्यो जाल्यार तांचो सगल्यांकूच लाभ जातलो अशी पुराय खात्री आसा. असो संग्रह म्हजे इश्ट **गोविंद** रघुनाथ म्हणल्यारूच **अण्णासाहेब** दाभोलकर हांणी केल्लो आसा. तातूंतलो बरोचसो वांटो तांणी ओंवयांच्या रुपांत बरयलां. ह्या ओंवयांच्या रुपांतल्या ग्रंथाचो आरंभ म्हाराज देहरुपान आसतना प्रत्यक्ष तांचेच आज्ञेन जाल्लो. आतां मेरेन ताचे **३५** अध्याय बरोवन तयार आसात. ग्रंथ भोव म्होंवाळ आनी भक्तीपूर्ण असो जाल्लो आसा आनी तो भक्तांकूच न्हय जाल्यार हेर वाचप्यांकूय हिताचो थारतलो हाचे विशीं कसलोच दुबाव ना. हातूंतल्यो ओंवयो एकनाथ म्हाराजांच्या ओंवयांचे धरतेर आशिल्ल्यान ग्रंथ वाचतना नाथम्हाराजांचे वाणयेचें परत परत स्मरण जाता. थोडे भितर, हो ग्रंथ **श्रीसाईनाथ म्हाराजांच्या** प्रसादाचें फळ, ही गवाय पावला पावलाचेर मेळटा.

ह्या ग्रंथाचे पुण्यायेन म्हाराजांच्या भक्तांक आनी हेर भावीक वाचप्यांक उपाट खोस आनी बोध मेळूं आनी तातूंतल्यान तांची म्हाराजां विशींची श्रद्धा आनी भक्ती चडांत चड वाडूं अशी म्हाराजांच्या चरणां कडेन प्रार्थना करून ही प्रस्तावना सोंपयतां.

**बाबांचें एक बाळक**

**हरी सीताराम दीक्षित**

**॥ श्रीदत्तचित्साईगुरूभ्यो नमः ॥**

# श्रीसाईसच्चरीत–प्रस्तावना

(१) आमच्या ह्या आर्यावर्तांत सद्गुरूकृपा जाले बगर मोक्ष ना अशी दृढ समजूत, दृढ सिद्धांत आसा. हो सिद्धांत आयज कालचो न्हय. तो खूब पोरणो. वेदकाळासावन तो आसा आनी ताका वेदशास्त्रांचो आदार आसा. सद्गुरू खंयचेय जातीचे, धर्माचे, पिरायेचे, प्रत्यक्ष वा ग्रंथरूप, दादले आसूं वा अस्तुरी, साधुसंत, देवता, माता, पिता आसूं, भावभयण आसूं, इश्ट आसूं, घोवबायल आसूं, ज्ञात आसूं वा अज्ञात, ते कशे आसचे, तांची सेवा कशी करची, तांची कृपा केन्ना जाता, ते उपदेश केन्ना करतात, ज्ञानप्राप्ती केन्ना जाता आनी ज्ञानोत्तर मनोवृत्ती कशी जाता हाचें सर्वोत्कृश्ट वर्णन भगवान श्रीसमर्थ सद्गुरू ज्ञानेश्वर म्हाराज हांणी आपल्या श्रीमद्भगवद्गीताभाश्यांत केल्लें आसा. म्हाराज बरयतात -

**तें ज्ञान पैं गा बरवें । जरी मनीं अथि आणावें । तरी संतां या भजावें । सर्वस्वेंसीं ॥१६५॥**
**जे ज्ञानाचा कुरुठा । तेथ सेवा हा दारवंटा । तो स्वाधीन करी सुभटा । वोळगोनी ॥१६६॥**
**तरी तनुमनुजीवें । चरणासीं लागावें । आणि अगर्वता करावें । दास्य सकळ ॥१६७॥**
**मग अपेक्षित जें आपुलें । तेंही सांगती पुसिलें । जेणें अंतःकरण बोधलें । संकल्पा न ये ॥१६८॥**

**– श्रीज्ञानेश्वरी, अ. ४ श्लो. ३४**

गुरूसेवेचे मार्ग, साधना, वा आंगां अनेक आसात. अद्वितीय राजकारणी दादले, राज्यसंस्थापक पराक्रमी वीर, अलोकीक

शास्त्रकार, इतिहासकार, नाटककार, विशाळ बुद्धीचे शिक्षक, व्याख्याते, लेखक हे सारक्या व्हड मनशांक आपले वेव्हारगुरू मानून तांची चरित्रां बरोवप ही गुरूसेवा आनी लोकसेवा आसा. मात ही सेवा ऐहीक स्वरुपाची आशिल्ल्यान ती कालमानाप्रमाण करपाची आसता. तिचें म्हत्व आनी फळ शाश्वत नासता., तिका देशकालाची मर्यादा आसता. तिच्यांत जरी लोकशिक्षण, परोपकार बरोच आसलो तरीय ती स्वार्थमूलकूय आसता. म्हणून ती परमार्थ फलदायी न्हय.

(२) बऱ्याच साधुसंतांचीं चरित्रां बरोवप होय एक गुरूसेवा प्रकार आसा आनी तो परमार्थफळ दिवपीय आसा. मात हो आनी वयर सांगिल्लो प्रकार हे दोनूय एकादेशी वा एकांगी आसात. तांचें फकत लेखन केल्ल्यान पारमार्थीक निमणी मोख मेळप कुस्तार, वा ती मेळना म्हणपूच योग्य जातलें.

(३) म्हजे अल्प समजुती प्रमाण लेखनसेवेंत सगल्यांत उत्तम आनी खात्रेन मोक्षफळ दिवपी आनी तितलीच श्रेश्ठ सेवा म्हणल्यार गुरूआज्ञा मानून वा आपले अंतस्फुर्तीन आपल्या सद्गुरूचें चरित्र बरोवन ताचें नित्य नेमान आपूण स्वता अध्ययन वा देशकाल-प्रकृत्या अनुकुलताये प्रमाण दृढ निश्चेवान, शुद्ध अंतस्कर्णान, उत्कृश्ट श्रद्धेन, अपार प्रेमान आनी अव्यभिचारी भक्तीभावान शेंकड्यांनी पारायणां आनी सप्ता करप आनी हेर सद्भक्तांक करपाक सांगप ही सेवा आसा. ही सेवा शरीरवाङ्मनात्मक आसा, ती कुटुंबपोशण मार्गाच्या वा ऐश्वर्याच्या आड येना.

(४) चरित्रलेखनांत दोन भेद आसतात. - संक्षिप्त वा विस्तृत आनी गद्य वा पद्य, अध्ययन, पठण, पारायण वा सप्ता करपाक विस्तृत वा पद्यचरित्रांच योग्य थारतात. गद्यचरित्रांचीं पारायणां वा सप्ता करपाची वयवाट ना. गद्य पाठ करपाक कठीण. पद्य रोखडेंच आनी सहज पाठ जाता. स्मरणांत उरता आनी वेळार उगडासूय जाता. आमचें पुर्विल्लें संस्कृत वाङमय भोवतेक पद्यांतूच आसा. हाचें कारणूय हेंच आसपाक जाय. पद्य आनी विस्तृत गुरूचरित्राचें अध्ययन, पठण, पारायण आनी सप्ता हातूंतल्यान

गुरूसेवा उत्तम जाता असो सार्वत्रीक अणभव आसा तशेंच आमचेमदीं परंपराय तशीच आसा.

(५) पारायणा वा सप्ता करपाची चाल ही बरीच पुर्विल्ली म्हणल्यार वेदकाळापसूनची आसा. वेदांची, भागवताची, रामायणाची, योगवासिष्ठाची हे सारक्या संस्कृत ग्रंथराजांचीं पारायणां आनी सप्ता नित्य खंय ना खंय जायतूच आसतात हें आमी आयकतात आनी पळयतात.

(६) तेच भशेन श्रीज्ञानेश्वरी, श्रीनाथभागवत, श्रीदासबोध हे सारक्या विश्ववंद्य ग्रंथराजांचीं पारायणां आनी सप्ता नित्य खंय ना खंय जायतूच आसतात. ही चालूय पुर्विल्ली आसा. हीं चरित्रां म्हणल्यार फकत ग्रंथ न्हय, ते ऐहीक आनी पारमार्थीक ज्ञानग्रंथ आसात. अशा वेळार जे कोण ह्या ग्रंथनिर्मात्यांक वा ह्या ग्रंथाकूच आपले गुरू मानतात तांकां त्या ग्रंथाचें अध्ययन, पठण, पारायण आनी सप्ता केल्ल्यान दुबावा विरयत सर्वोत्कृश्ट, जाची तुळा जावंक शकची ना अशी आनी मोक्षफळ दिवपी गुरूसेवा घडटा.

(७) गुरूचरित्र म्हणल्यार गुरूंचो अवतार, भुरगेंपण, तरणाटेंपण, जाणटेंपण, तांणी केल्ल्यो अद्‌भूत लिला, दाखयिल्ले अतूल चमत्कार, केल्लीं अवतारकार्यां हे सारक्यां गोश्टींचो बरयिल्लो सत्य आनी विस्वास दाखोवपी ग्रंथ.

(८) वयल्या फकत ज्ञानग्रंथांचो आनी गुरूचरित्रग्रंथांचो उपेग मात दोनूय प्रकारांनी करतात. काम्य नदरेन आनी निश्काम्य बुद्धीन. काम्य - ऐहीक, ऐश्वर्य उपभोगा खातीर वा हुसको, अरिश्ट, संकश्ट, रोग हाल, पिडेचें निवारण जावपा खातीर आनी निश्काम - संवसारनिवृत्ती वा जल्ममरण मुक्तताये खातीर. निश्काम गुरूसेवा ही केन्नाय श्रेश्ठूच थारतली. मागीर ती गुरूचरित्र-लेखन-सेवा आसूं वा हेर कसल्याय प्रकाराची आसूं.

(९) गुरूचरित्र-लेखन-सेवा ही नारदपुराणांत दिल्ली आसा. ताचे वयल्यान ती बरीच पुर्विल्ली आसा हाचे विशीं दुबाव ना.

(१०) आमचे भारतभुयेंत अवतरिल्ल्या साधुसंतांचीं त्रोटक चरित्रां आमचे कडल्या प्रसिद्ध श्रीमन्महिपती कविम्हाराजांनी

मराठींत ओवयांच्या रुपांत आमच्या प्रख्यात संवसारीक मान्यताय आशिल्ल्या श्रीभक्तीलीलामृत आनी श्रीसंतलीलामृत ह्या दोन ग्रंथांतल्यान बरोवन दवरिल्लीं आसात.

(११) तशेंच उपरांतच्या भोवतेक सगल्या महाराष्ट्रीय सध्याच्या काळांतल्या साधुसंतांचीं पूर्ण चरित्रां आमचे प्रसिद्ध श्रीदासगणू कविम्हारांनी आपल्या विख्यात श्रीभक्तलीलामृत, श्रीसंतलीलामृत आनी श्रीभक्तीसारामृत ह्या तीन मराठी ग्रंथांतल्यान ओवयांच्या रुपांत बरोवन दवरिल्लीं आसात.

(१२) ह्यां वयर सांगिल्ल्या दोनांय कविनीं बरोवन दवरिल्ल्या दरेका ग्रंथाचें पारायण वा सप्ता करपाक जातात. मात तांचे मदल्या खंयच्याय एका साधुसंताच्या चरित्राचें स्वतंत्र रितीन पारायण वा सप्ता करपाचो म्हणलें जाल्यार तें चरित्र सर्वांगपूर्ण आनी विस्तृत नाशिल्ल्यान आनी त्या चरित्राक वयल्या ग्रंथांत चडांत चड दोन तीन पानांच वापरिल्लीं आशिल्ल्यान तें चरित्र सप्ता वा पारायण करपाक कशेंच उपेगाक पडना.

(१३) विस्तृत पद्यमय गुरूचरित्राचें अध्ययन केल्ल्यान, पठण केल्ल्यान वा सप्ता केल्ल्यान चरित्रबरोवप्याक तर गुरूसेवा घडटाच, ते भायर हेर भक्तांनीय त्या चरित्राचें अध्ययन केल्ल्यान, पठण केल्ल्यान, पारायण वा सप्ता केल्ल्यान बरोवप्याक जनीजनार्दनाची सेवा घडून, लोकसंग्रहाचे सेवेचें श्रय मेळून त्या हेर भक्तांच्या जल्माचेंय सार्थक जाता.

(१४) सद्‌गुरू ग्रंथरुपान आपल्या भक्तां कडल्यान दोन प्रकाराची सेवा घेतात. एक, श्रीज्ञानेश्वरी, श्रीनाथभागवत, श्रीदासबोध असले म्हान ग्रंथ आपूण स्वताच निर्माण करून वा दुसरी आपलीं चरित्रां आपल्या सद्भक्तां कडल्यान बरोवन घेवन तांचें बरोवप्या कडल्यान वा भक्तां कडल्यान अध्ययन, पठण, पारायण आनी सप्ता रुपान सेवा करून घेवप.

(१५) अनेक सद्भक्तांनी आपआपले इत्शे प्रमाण आनी आवडी प्रमाण आयज मेरेन वेगवेगळ्या प्रसंगांचेर आनी वेगवेगळ्या

भासांनी आपआपल्या गुरूंचीं गद्याप्रमाण पद्य चरित्रां बरोवन संवसाराक रिणांत दवरला. मात, पारायणां आनी सप्ता करपाक योग्य, विस्तृत, पद्य, सर्वांगपरिपूर्ण, प्रख्यात अशे उणेच आमच्या महाराष्ट्रांत तरी पयले, भोव पोरणे, गोड, रोसाळ, रुचीक, प्रासादीक, श्रीसरस्वतीगंगाधर हांणी क्षेत्र औदुंबर, श्रीवाडी, श्रीगाणगापूरनिवासी, श्रीसमर्थ सद्‌गुरू नृसिंहसरस्वती म्हाराज हांचें बरयिल्लें चरित्र, जें परिपूर्ण वा व्हडलें गुरूचरित्र म्हूण हालीं प्रसिद्ध आसा. जें जाणट्या नेणट्यांचे उत्तम वळखीचें आसा. जाचे दीसपट्टे हजारांनी सुवातांचेर नेमान अध्ययन - पठण जाता आनी प्रसंगा प्रमाण जाची पारायणां आनी सप्ता जातात. दुसरे हालींच्या काळांतले म्हेंवाळ, रसपूर्ण, उद्‌बोधक, प्रसादजन्य स. भक्तवर्य श्री. गोविंद रघुनाथ म्हणल्यारूच अण्णासाहेब दाभोलकर हांणी श्रीक्षेत्र शैलधी (शिर्डी), तालुको कोपरगांव (सध्या ता. राहाता), जिल्लो अहमदनगर हांगाचे निवासी, क्षेत्रसंन्याशी, आधुनीक संतचुडामणी श्रीसच्चिदानंद समर्थ सद्‌गुरू श्रीसाईबाबा म्हाराज हांचें बरयिल्लें चरित्र जें 'श्रीसाईसच्चरीत' ह्या नांवान 'श्रीसाईलीलेंत' **६** वर्सां दरेका आंकांत एक एक अध्यय अशे तरेन उजवाडाक येवन, हालींच अंदुंच्या (सातव्या वर्साच्या) **५, ६, ७, ८** ह्या जोड आंकांत अवतरणिका अध्याया सयत पूर्ण जाल्लें आसा आनी जाचे खातीर हालींच ही प्रस्तावना बरयल्या. अशा ह्या दोन ग्रंथां भायर आनीक कोणेंय तिसरें इतलें विस्तृत बरयिल्लें गुरूचरित्र मेळना.

(**१६**) श्रीसमर्थ सद्‌गुरू टेंभेस्वामी म्हणल्यारूच वासुदेवानंदसरस्वतीम्हाराज हांणी एक विस्तृत, विद्वत्तापूर्ण, विविधवृत्त, उतरांचे अळंकार, अर्थाचे अळंकार, कुट्‌टकसुभाषितयुक्त अशें बरयिल्लें छापील गुरूचरित्र बऱ्याच वर्सां आदीं म्हजे पळोवणेंत आयिल्ल्याचो उगडास जाता.

(**१७**) तशेंच श्रीसमर्थसद्‌गुरू श्रीक्षेत्र बाळेकुंद्री हांगाचे रावपी दत्तम्हाराज हांणीय एक गुरूचरित्र बरयलां अशें आयकलां., मात हें गुरूचरित्र अजून मेरेन छापून उजवाडाक आयिल्लें दिसना.

(१८) श्रीसमर्थसद्गुरू वासुदेवानंदसरस्वतीम्हाराजांनी बरयिल्लें गुरूचरित्र श्रीसरस्वतीगंगाधरांनी बरयिल्ल्या गुरूचरित्रा इतलें अजुनय उजवाडाक आयिल्लें दिसना. घडये म्हाराजांच्या भक्तां कडल्यान ताचें अध्ययन, पठण, पारायण आनी सप्ता श्रीपुण्यमहासरीत नर्मदेचे देगेर गायकवाडींत चांदोद-कर्नाळी कडल्यान बरेंच पयस आशिल्ल्या श्रीगरुडेश्वरक्षेत्रांत म्हाराजांच्या समाधी देवळांत जायतूय आसत., मात तेविशींची नक्की म्हायती मेळूंक ना. हें चरित्र म्हाराजांनी स्वताच बरयिल्लें आशिल्ल्यान ताची तुळा श्रीसरस्वतीगंगाधर वा स. श्री. अण्णासाहेब दाभोलकर हांणी बरयिल्ल्या गुरूचरित्र लिखाणा कडेन करप शक्य जावचें ना.

(१९) स्वता श्रीसमर्थसद्गुरू साईबाबा म्हाराज हांचे कृपेक पात्र थारिल्ले आनी आधुनीक कविक्षेश्ठांत जांची मुखेलपणान गणना जाता आनी जाणीं आयज मेरेन मनाचे श्लोक, जलददूत काव्य, नाटकखंड, लावण्यो, पोवाडे, ग्राम्यगीत, अर्वाचीन भक्तीलीलामृत, संतलीलामृत, भक्तीसारामृत, ईशावास्यभावार्थमंजिरी, अमृतानुभवटीका, गोदामाहात्म्य, स्तोत्रां, अष्टकां, सुभाषितां, किर्तन उपेगी आख्यानां, चक्रीभजन, स्फूट कविता हे सारके अनेक ग्रंथ बरयले. सगल्यांचे वळखिचें अशें श्रीदासगणूमहाराज हांणी श्रीबाबांचीं दोन चरितां एक तांणी आपल्या भक्तीलीलामृतांत आनी दुसरें भक्तीसारामृतांत अनुक्रमान **३१, ३२, ३३** आनी **५२, ५३** ह्या अध्यायांनी बरयल्यांत. पयल्याची पानां **१२** आसात आनी तातूंत **५०९** ओवयो आसात, दुसरें **१२** पानांचें आनी तातूंत **४९७** ओवयो आसात.

(२०) ही दोनूय चरितां सर्वोत्कृश्ट, काळजाक भिडपी, रोसाळ, प्रसादा सारकीं आसात हाचे विशीं इल्लोय दुबाव ना. तीं वाचप, पठण, पारायण वा सप्ता करपाक योग्य आसात. फकत तीं सामकींच ल्हान आसात इतलेंच. तांच्यातली कथा आनी श्रीसाईसच्चरितांतली कथा उण्या अदीक प्रमाणान एकूच आसात. आमच्या देसाची हीन स्थिती आनी ताचे फाटलीं कारणां हांचें काळजाक भिडपी चित्रण श्रीदासगणू म्हाराजांनी हेर ग्रंथां प्रमाणूच ह्या सुपुल्ल्या चरित्रांतूय उत्तम रितीन पितारिल्लें आसा. श्री.

अण्णासाहेब हे भानगडींत मात्त पसून पडूंक नात.

(२१) श्रीक्षेत्र वाडी हांगाच्या श्रीदत्तस्तवराज ह्या सुपुल्ल्या पुस्तकांतले म्हायती वयल्यान श्रीसरस्वतीगंगाधर हांणी बरयिल्ल्या बृहद्गुरूचरित्रा परस एक आगळो स्वतंत्र फकत **७७०** श्लोकांचो लघुगुरूचरित्र नांवाचो ग्रंथ वाडींत आसा. तो व्हडल्या गुरूचरित्रा परस बरोच पुर्विल्लो आसा अशें दिसता, पूण हें चरित्र कोणें आनी केन्ना बरयलें तें कळपाक मार्ग ना. हातूंतले चरित्रनायक तेच व्हडल्या गुरूचरित्रांतले चरित्रनायक आसात. ह्या चरित्रनायक श्रीसमर्थ सद्गुरू नृसिंहसरस्वती म्हाराजांचो समाधीकाल शके **११४०** हो आसा, अशें लघुगुरूचरित्रांतल्यां **७०५, ७०६, ७०७** ह्या ओवयां वयल्यान दिसता.

(२२) श्रीसरस्वतीगंगाधर हांचें आडनांव साखरे. ह्या साखरे कुळांतले श्रीसायंदेव हे श्रीसमर्थ सद्गुरू नृसिंहसरस्वती म्हाराजांचे कृपेक पात्र थारले. तांचेर उपरांत सद्गुरूंचो अनुग्रह जावन ''तुज्या कुळां कडल्यान म्हजी अखंड सेवा जायत रावतली,'' अशें वरदान तांकां मेळ्ळें. श्रीसायंदेवा पसून पांचवे पुरुष हे श्रीसरस्वतीगंगाधर आसात. ह्या श्रीसरस्वतीगंगाधर हांकां हालीं प्रसिद्ध आशिल्लें बृहद्गुरूचरित्र बरोवपाक स्वता श्रीसमर्थ सद्गुरू नृसिंहसरस्वती म्हाराज हांणी आज्ञा केली, अशें त्याच चरित्रांत बरयिल्लें आसा. हाचे वयल्यान हें चरित्र्य बऱ्यांच वर्सांचें पोरणें आसा अशें दिसता. चरित्र बरोवपाचो वा चरित्र बरोवप्याचो काल दिल्लो ना.

(२३) ह्याच श्रीसमर्थ सद्गुरूनृसिंहसरस्वती म्हारांजो अवतार परत श्रीक्षेत्र आळंदी हांगां जावन शके **१८०७** वर्सा तांणी समाधी घेतली अशें श्रीदासगणू म्हाराजांनी आपल्या श्रीभक्तलीलामृत ह्या ग्रंथाच्या **३०** व्या अध्यायांत **१२** आनी **१०३** ओवयेंत बरयिल्लें आसा. हाचे वयल्यान हालीं प्रचारांत आशिल्लें व्हडलें गुरूचरित्र शके **१८०७** वर्सा उपरांत बरयिल्लें ना. लघुचरित्रा इतलें जरी पोरणें नासलें तरीय खात्रेन **१८०७** वर्साच्या बरेंच पयलीं बरयिल्लें आसूंक जाय हाचे विशीं दुबाव ना.

(२४) आसूं, आमकां गुरूसेवा घडची, आमच्या हातांतल्यान शक्य तितलो लोकसंग्रहूय जावचो आनी आवयभास साहित्याची सेवा जावची ह्या हेतान श्रीसमर्थ सद्गुरू साईबाबाम्हाराज हांचे आज्ञे वयल्यान श्री. अण्णासाहेबांनी सेवावृत्तीशृंखला विमोचन जाले उपरांत हें गुरूचरित्र बरयलां.

(२५) श्रीसरस्वतीगंगाधर हांच्या गुरूचरित्रा प्रमाणूच ह्या श्रीसाईसच्चरितांत अवतरणिका अध्याया सयत **५३** अध्याय आसात. पयल्यांत **७३००** ओवयो आसात जाल्यार दुसऱ्यांत **९४५०** ओवयो आसात.

(२६) संस्कृतांत जसो अनुष्ठूप छंद तशेंच मराठींत ओवी स्वरूप हें व्हड कवित्व बरोवपाक योग्य आसा. चरित्रग्रंथांक ओवी स्वरूप सोंपें आसता म्हणुनूच मराठींतले भोवतेक व्हडले नामांकीत संवसारमान्य पद्यग्रंथ ओवयांच्या स्वरुपांतूच बरयिल्ले मेळटात. हेच खातीर श्रीसाईसच्चरितूय ओवी स्वरुपांतूच बरयलां.

(२७) श्रीसरस्वतीगंगाधर हांच्या गुरूचरित्रांतल्यो कथा पुरायेन विस्वास दवरपा सारक्यो आनी अणभव घेवपा सारक्योच आसात. मात त्यो श्रीसरस्वतीगंगाधर हांच्या प्रत्यक्ष अणभवाच्यो आसात वा तांची म्हायती तांकां एकल्या कडल्यान दुसऱ्या कडेन अशे तरेन उलोवपांतल्यान मेळ्ळी वा जांच्यो कथा बरयल्यात तांणी स्वता तांकां प्रत्यक्ष वा पत्रांतल्यान कळीत केल्यो हें कळपाक सध्या आमचे कडेन कसलोच मार्ग ना, तशेंच त्या ग्रंथांत ते विशींचो खुलासोय केल्लो ना.

(२८) श्रीसाईसच्चरितांत ज्यो कथा वा लिला सांगल्यात तांचे मदल्यो चडश्यो श्री. अण्णासाहेबांनी स्वता दोळ्यांनी पळयल्यात आनी हेर ज्या भक्तांक श्रीसाईंचे प्रत्यक्ष वा सपनांत अणभव आयले आनी जांणी ते अणभव तांचे समजीकाये प्रमाण जश्याक तशे अण्णासाहेबांक बरोवन कळीत केले वा तोंडी निवेदन केले तांचे मदले बरेच जाण अजूनय जिवे आसात. त्यो लिला आनी अणभवांचेर अण्णासाहेबांनी फकत आपल्या प्रासादीक आनी रोसाळ उतरांनी कथास्वरुपाचो पद्य स्वरुपांत, म्होवाळ आनी

सोबीत अळंकार चडोवन काळजाक भिडपी वर्णन श्रीसाईसच्चरितांत केल्लें आसा.

(२९) दरेका अध्यायांत सुरवातीक वेदान्त, उपरांत गुरूभोवमान आनी उपरांत कथा हे प्रमाण **५१** अध्यायांची मांडणी केल्या. **५२** व्या अध्यायांत सिंहावलोकन केले उपरांत अवतरणिका दिवन ग्रंथ पुराय करुया अशें पयलेच एके ओवयेंत बरयलां. पूण हालीं जो **५२** वो अध्याय उजवाडाक आयला तातूंत सिंहावलोकनूय दिसना आनी अवतरणिकाय पळोवंक मेळना. तातूंत श्रीसद्‌गुरूम्हात्म्य, श्रीसाईसच्चरीत -फलश्रुती, ग्रंथकाराची प्रसाद याचना आनी प्रार्थना इतल्योच गोश्टी आसात. '**५१** वो अध्याय उजवाडाक आयलो. आतां फकत **५२** वो अध्याय उजवाडाक येवपाचो उरिल्लो तो ह्या आंकांत उजवाडाक येवन श्रीसाईसच्चरीत ग्रंथ आतां पूर्ण जाल्लो आसा.' अशीं स्वता अण्णासाहेबांचीं बरयिल्लीं उतरां 'श्रीसाईलीला च्या सव्या वर्साच्या तिसऱ्या आंकांत ८८० पानाचेर छापिल्लीं आसात. हाचे वयल्यान अवतरणिकेच्यो आनी सिंहावलोकनाच्यो ओवयो बरयिल्लीं कागदां खंयतरीं शेणिल्लीं आसूंये अशें दिसता. सदांचे संवये प्रमाण अण्णासाहेबांनी **५२** वो अध्यायूय कागदांच्या कुडक्यांचेरूच बरयिल्लो. तीं कागदां म्हजे कडेन तपासणे खातीर आयिल्लीं. तातूंत ओवयांचे क्रमांक नाशिल्ले आनी कागदांचे आंक **२०**च्यान फुडें आशिल्ले. हाचे वयल्यान सिंहावलोकनाच्यो वा अवतरणिकेच्यो ओवयो शेणल्यो आसूंये वा विसरून तयार करपाच्योच उरल्यात आसूंये अशें दिसता. हालीं अवतरणिकेचो नवो अध्याय तयार करून तो **५३** वो अध्याय म्हूण ग्रंथाक जोडिल्लो आसा. अशे तरेन एकवटीत ह्या श्रीसाईसच्चरिताची वा गुरूचरित्राची रचना आसा.

(३०) श्रीबाबांचें शिरडी वाठारांत पयलें आगमन, परत वचप, परथून प्रकट जावप, तांच्यो आगळ्यो लिला, अप्रतीम चमत्कार, भक्तांचे अणभव, अनुग्रह, उपदेश-ग्रंथ वाचन, ग्रंथ लेखन, पादुका पुजन, इश्टदेवता पुजन, ईश्वर भजन, जप, तप, नामस्मरण, आसन, उपासना, धन-पूत-घरकान्न- दान, संकश्ट निवारण, पिडानाश, योग ऐश्वर्य, मशीदमाई-वैभव, उदीमाई-

प्रभाव, धुनीमाई-प्रताप, घरट्टपेषणपराक्रम, नित्यक्रम, खावप भोंवप, न्हीदप, चिलीम, पादुका, भेस, संताविष्करण, दुबाव निरसन, पंचमहायज्ञसामर्थ्य, धर्मशिक्षण, वेव्हार शिक्षण, परमार्थपाठ, सर्वव्यापकत्व, सर्वज्ञताय, मनोगत कथन, पूर्वकथन, पूर्वजल्म कथन, भविष्य कथन, हांडो वा डेग, चावडी, भिक्षा, भिक्षाधिकार, देवूळ, लेंडीबाग, उत्सव, पंचतत्वप्रभुत्व, परस्पर मनोमय चिच्छाक्तिसंदेश, औदार्य, भक्ती, ज्ञान, वैराग्य, दया, क्षमा, शांती, निर्याण हे सारक्या विशयांच्यो सुमार **१५०** ते **१७५** मेरेन कथा, उपकथा आनी आडकथा ह्या श्रीसाईसच्चरितांत सांगल्यात.

(**३१**) बरेच कडेन एकेका अध्यायांत **२, ३, ४, ५** पसून कथा आयल्यात, जाल्यार बरेच कडेन **२** वा **३** अध्याय मेळून एकूच कथा सांगिल्ली आसा.

(**३२**) कविता-ग्रंथ तीन प्रकारांचे आसतात : सैमीक, प्रासादीक आनी कृत्रीम. कृत्रीम कविता फकत विद्वत्तेच्या आनी बुद्धीमत्तेच्या बळग्यार केल्ली आसता., ती उत्तम थारतली., मात शाश्वत तिगची ना आनी तिच्यांत प्रतिभा, प्रसाद वा देणगी हे गूण केन्नाच येवचे नात. गुरूकृपे बगर आंगांत कितलीय विद्वत्ता आसली तरीय हालींच्या ग्रंथा सारको ग्रंथ तयार जावप कुस्तार. खंयच्याय पारमार्थीक ग्रंथांत वयले तीन गूण आसले बगर मोक्षाची इत्सा धरपी वाचकांचेर ताचो केन्नाच प्रभाव पडचो ना आनी ताची ताचेर श्रद्धाय वा विस्वास बसचो ना. श्रीसाईसच्चरीत हो ग्रंथ प्रसादा सारको आसा. ताका लागून तो खंयच्याय मोक्षाची इत्सा धरपी भक्ताक आवडपी आसून ताचें सदांच अध्ययन, पठण जावन ताचीं शेंकड्यांनी पारायणां आनी सप्ता जाले बगर रावचीं नात.

(**३३**) अण्णासाहेबांच्या घराण्यांत मुळासावनूच गुरूभक्ती आसली वा नाशिल्ली हें कळपाक हालीं मार्ग ना., मात अण्णासाहेबांनी आपल्या स्वताविशीं तिसऱ्या अध्यायांत जी कथा सांगल्या तिचे वयल्यान पळयल्यार अण्णासाहेबांक मुळांत गुरूभक्ती वा

गुरूप्रेम मात्तूय नासलें. तशेंच, गुरू करप हें फकांड आसा अशें तांकां दिसतालें, ताका लागून गुरू करपाची गरजूच ना अशें ते म्हणटाले. तशेंच स्वकर्तृत्वाचो अभिमान चड धरताले., मात श्रीबाबांची नदरेक नदर जावन मनांतल्यान कांय साक्ष दाखोवपी उतरांचो उच्चार जातकूच तांचो अभिमान पुरायेन गळून गेलो आनी सद्‌गुरू बगर आनीक उपाय ना हाची तांकां पूर्ण खात्री पटली. उपरांत तांचेर बाबांची कृपाय जाली. श्रीसाईसच्चरीत बरोवप हें ते कृपेचेंच फळ आसा. अण्णासाहेबांनी विश्ववंद्य सद्‌गुरू नाथम्हाराजांच्या श्रीएकनाथी भागवत भाशा पद्दतीची रचना केल्ली दिसून येता.

(३४) श्रीसाईसच्चरीत बरोवपा विशीं आधुनीक विद्वन्मणी श्री. चिंतामणराव विनायक म्हणल्यारूच नानासाहेब वैद्य हांणी आपलो अनुकूल अभिप्राय प्रकट करून अण्णासाहेबांक 'महिपती' ही पदवी दिवन तांचो भोवमान केला. (श्रीसाईलीला वर्स **२**, आंक ९, पान **१८२**) हाचे वयल्यान हें श्रीसाईसच्चरीत निखटें गुरूचरित्र न्हय तर तें एक उत्कृश्ट रोसाळ काव्य आसा.

(३५) श्रीसाईसच्चरितांत भगवान श्रीज्ञानेश्वर म्हाराज बरयतात ते प्रमाण अण्णासाहेबांचे वाणीचें आनी बरोवपाचें सार्थक जाल्लें आसा. **''वाचे बरवें कवित्व । कवित्वीं बरवें रसिकत्व । रसिकत्व परतत्व । -स्पर्शु जेसा'' ॥३४७॥** (श्रीज्ञानेश्वरी अ. **१८**, श्लो. **१४**). ग्रंथांत दृश्टांत, उपमा, अळंकार, रसपरिपोष हांचो भरपूर वापर जाल्लो आसा.

(३६) श्रीसरस्वतीगंगाधर हांणी बरयिल्ल्या गुरूचरित्रा प्रमाण ह्याय श्रीसाईसच्चरिताचें नित्य अध्ययन आनी पठण जावन ताचीं शेंकड्यांनी पारायणां आनी सप्ता जावचे अशी ग्रंथकाराची भोव इत्सा आसली. ती इत्सा फळादीक जाल्या हो सुवाळो पळोवपाक ते जिवे उरले नात हें दुर्दैव म्हणचें पडटलें.

(३७) हो ग्रंथ मोक्षाची इत्सा धरपी भक्तांक एके तरेचो गोड, म्होवाळ, परमार्थ मेवाच आसा. अण्णासाहेबांचे सद्इत्शेक मान दिवन मोक्षाची इत्सा धरपी भक्तांनी स्वता आपूण ह्या मेव्याचें श्रद्धेन आनी मनाकाळजा थावन सेवन करून हेर भक्तांकूय तें

करपाक सांगलें जाल्यार भगवान श्रीज्ञानेश्वर म्हाराज बरयतात ते प्रमाण मोक्षाची इत्सा धरपी भक्तांक ज्ञानयज्ञान श्रीसाईपरमात्मो धादोशी केलो अशें जावन ते कुडीच्या नाशा उपरांत त्याच षडगुणैश्वर्य श्रीसाईपरमात्म्या कडेन एकरूप जातले हाचे विशीं इल्लोय दुबाव ना.

**पैं माझिया तुझिया मिळणीं । वाढवली जे हे कहाणी । मोक्षधर्म का जिणी । आलासे जेथें ॥**
**तो हा सकलपार्थप्रद । आम्हां दोघांचा संवाद । न करितां पदभेद । पाठेंचि जो पढे ॥**
**तेणें ज्ञानानळी प्रदीप्तीं । मूळ अविद्येचिया आहुतीं । तोषविला होय सुमति । परमात्मा मी ॥**
**ते हे मंत्ररहस्य गीता । मेळवी जो माझिया भक्तां । अनन्यजीवन माता । बाळका जैसी ॥**
**तैसी भक्तां गीतेसी । भेटी करी जो आदरेंसी । तो देहापाठीं मजसीं । येकचि होय ॥**

श्रीज्ञानेश्वरी, अ. १८, श्लोक ७० आनी ६८, ओवयो **१५२४, १५२५, १५२६, १५१२** आनी **१५१३**, सं. कुंटे प्रत पानां **५३०–५३१**.

अखेरेक कर्तुमकर्तुमन्यथाकर्तुम् शक्तीमान, सर्वज्ञ, सर्वसाक्षी, श्रीसमर्थसद्गुरूसाईपरमात्म्याच्या पुण्यचरणकमलांचेर अनन्यभावान नमळायेन मस्तक दवरून ही बरीच लांबिल्ली प्रस्तावना सोंपयतां.

**ठाणे :** | **बाबांचें बाळ**
**ता. २०.११.१९३०.** | **(स. बाळकृष्ण विश्वनाथ देव)**

# श्रीसाईसच्चरीत

**उपोद्घात** - स. हरी सीताराम दीक्षित

**प्रस्तावना** - स. बाळकृष्ण विश्वनाथ देव

**दोन उतरां** - स. गोविंद रघुनाथ दाभोलकर हांचें चरित्र आनी भक्तांक सुचोवणी - श्री. नागेश आत्माराम सावंत

श्री ज्ञानेश्वरींतल्यो कांय ओवयो


**अध्याय**

१ मंगलाचरण

२ ग्रंथकर्त्याचें नांव हेमाडपंत अशें दवरतात.

३ ग्रंथ बरोवपाक आज्ञा, पठाणाचो वृत्तांत.

४ श्रीसाईबाबांचें शिरडींत आगमन.

५ श्रीसाईबाबांचो शिरडीक राबितो.

६ श्रीरामनम उत्सवाचो आरंब.

७ श्रीसाईबाबांचें योगसाधन, हिंदू काय मुसलमान? तांचो भेस, वागणूक, दिसपट्टे जिणेचो क्रम, चमत्कार, म्हारोग्या कडल्यान सेवा, खापर्डे सायबाच्या पुताक प्लेग दुयेसांतल्यान वाटावप, स्वतःचे कुडीचेर गाठी तयार जावप.

८ भिक्षाक्रम, तात्या, म्हाळसापती, खुशालचंद.

९ एक युरोपीयन बाबांचो अपमान करता आनी दुख्खी जाता. बाबासाहेब तर्खड आनी पुजा., मोनजात आनी भाकरेचो कुडको, वायंग्याचें भरतें आनी काचऱ्यो, सुतकी हातांनी धाडिल्लो पेडो.

१० वेंतभर फळयेचेर न्हिदप, पिशाच्चवृत्ती, लोकसंग्रह, बसकण, ध्यान, सामर्थ्य, म्हयमा.

अध्याय

११ डॉक्टर पंडिताची पुजा, हाजी शिद्दीक फाळके, ढगांचें धांकणें, वाऱ्याचेर नियंत्रण.

१२ महाजनी, धुमाळ, निमोणकर, मुळे ही मंडळी.

१३ बाळा शिंप्याचो कुलकुल्याचो जोर, बुटीसाहेबांची महामारी, भीमाजी पाटलाचो टीबी बरो करप.

१४ नांदेडाचे पारशी रतनजी, नांदेडाचे मौलीसाहेब तीन रुपया चौदा आणे.

१५ दासगणूंक नारदीय किर्तनाचो उपदेश, चोळकर, पालीचो चुकचुकपाचो अर्थ.

१६ एका मनशाची ब्रह्मप्राप्तीची इत्सा.

१७ हावरटपणा कडेन ब्रह्माची अखंड दुस्मानकाय.

१८ साठ्यांची गुरूचरित्र कथा, राधाबाईची उपदेशवार्ता.

१९ हेमाडांची अनुग्रह कथा.

२० दासगणूंचो ईशावास्य उपनिषदाचो दुबाव दीक्षितांची वावराडीण सुटावो करतली, आनी मुखार तशेंच जाता.

अध्याय

२१ प्रांताधिकारी, पाटणकर आनी एक वकील हांच्यो कथा.

२२ द्वारकामाई. मिरीकर आनी बुट्टी हांचें सोरोप चाबिल्ल्याचें निवारण.

२३ माधवरावांचे सोरोप चाबिल्ल्याचें निवारण, धुनी, दीक्षितांक गुरूआज्ञा.

२४ चण्यां वयल्यान शिकवण, अण्णा बाबरे, मावशीबाई.

२५ दामुअण्णा कांसार.

२६ पितळे हांकां अक्कलकोटीक रुपया दिल्ले ताची याद करप.

२७ माधवराव आनी विष्णुसहस्त्रनामाची पोथी.

२८ सपनांत दर्शन दिवन शिकवण.

२९ रघुनाथराव तेंडुलकर, डॉक्टर हाटे.

३० सप्तशृंगी देवीचे काकाजी उपासक, खुशालचंद रामलाल पंजाबी.

३१ मद्रासी सन्यासी विजयानंद, बाळाराम मानकर.

**अध्याय**

**३२** बाबा एक काणी सांगतात, गोखलेबाई.

**३३** विंचू चाबप, चांदोरकरांचे धुवेचो बाळंटेर, बाळाबुवा, उदीचे चमत्कार.

**३४** उदीचे चमत्कार.

**३५** निगुर्ण उपासक सगुण उपासक जाता. धरमसी जेठाभाई, सॉलिसिटर आनी बियो नाशिल्लीं द्राक्षां, उदी - अणभव.

**३६** गोंयकार दोग ग्रहस्थ, औरंगाबादचे सखाराम.

**३७** चावडी वर्णन.

**३८** हांडो.

**३९** 'तद्विद्धि प्रणिपातेन' हाचें श्रीमुखांतल्यान विवरण, नानासाहेब चांदोरकरांचें संस्कृत अभिमान हरण, श्री. बुटींक देऊळ बांदपाक आज्ञा.

**४०** डहाणू हांगासर बाळासाहेब देव हांणी दिल्ल्या ब्राह्मण भोजनाचो स्वीकार.

**अध्याय**

**४१** बाळासाहेब देवांक ज्ञानेश्वरीचें अध्ययन करपाची आज्ञा.

**४२** श्रीसाईदेह -विसर्जन कथानक.

**४३** श्रीसाईदेह -विसर्जन कथानक.

**४४** श्रींची समाधी.

**४५** आनंदराव पाखाड्याचें सपन बी.

**४६** माधवरावांची गया यात्रा, बोकडांच्या आदल्या जल्माची कथा.

**४७** सोरोप आनी बेबो आदल्या जल्मांत कोण आसले.

**४८** शेवडे आनी सपटणेकर हांच्यो कथा.

**४९** हरी कान्होबा आनी स्वामी सोमदेव.

**५०** 'तद्विद्धि प्रणिपातेन' हाचो खोलायेन अर्थ.

**५१** दीक्षित, बाळाराम, नांदेडाचे पुंडलीक वकील हांच्यो कथा.

**५२** ग्रंथ-सिंहावलोकन (आतां मेरेन जाल्ल्या कथांचेर एक नदर मारतना.)

**५३** अवतरणिका - श्री. बाळासाहेब देव हांचीं श्रीसाईनाथांचीं वचनां.

# भूपाळी

(श्री. रामचंद्र सीताराम देव हांणी गुरूपुनव ता ६–७–१९२५ दिसा सकाळीं म्हणिल्ली स्वता रचिल्ली भूपाळी)

उठा उठा सकळ जन । पाहूं चला साईचरण ।
तुटोनि जाईल भवबंधन । भावें चरण पाहतांची ॥ धृ.॥

त्यांचे होतांची दर्शन । तृप्त होतील नयन ।
भावें घालोनी लोटांगण । चरण तुम्हीं वंदा ते ॥१॥

कोटी तीर्थे चरणांपाशीं । त्या चरणीं सद्‌भावेंसी ।
नमुनी तुम्ही अहर्निशी । जन्म मरण चुकवा कीं ॥२॥

रूप पाहतांची लोचनीं । सुख होईल साजणी ।
अज्ञान जाऊनि तत्क्षणीं । ज्ञानज्योति प्रगटेल ॥३॥

जपा ''साईनाथ'' निर्धारी । नाम पावन चतुराक्षरी ।
तेणें चुकूनी तुमची फेरी । मोक्षपद मिळेल कीं ॥४॥

परब्रह्म हें अवतरलें । म्हणूनि नाम तें पावले ।
आतां जपा तेंची पहिलें । तुम्हा सुख व्हावया ॥५॥

साईनाम हाचि वन्हीं । महत्पापें तीं तत्क्षणीं ।
तृणवत टाकील जाळूनी । प्रातःकाळीं स्मरतांची ॥६॥

धर्मलोप बहू झाला । तेणें भूभार वाढला ।
म्हणूनी समर्थ अवतरला । जड मूढ ताराया ॥७॥

प्रातःकाळीं दर्शन घेतां । मुक्ति मिळेल सायुज्यता ।
तेणें चुकेल जन्मव्यथा । भावे दर्शन घेतांची ॥८॥

रूप सुंदर सुकुमार । दिसे अति मनोहर ।
पाहून तेंचि सत्वर । कृतार्थ तुम्ही व्हाल कीं ॥९॥

सत्य सांगे सितारामसुत । साई पहा हो प्रेमयुक्त ।
तेणें व्हाल जन्ममुक्त । संदेह कांहीं असेना ॥१०॥

श्रीसाईलीला, शके १८४७, वर्स ३, अंक ५, पान.२४४

# चित्रांची वळेरी

१. पयल्या पानाचेर – श्री साईबाबा मुर्ती फोटू

२. सच्चरीत – कवी स. ह. भ. प. गोविंद रघुनाथ दाभोलकर म्हणल्यारूच हेमाडपंत

३. श्रीगुरूस्थान मंदीर (लेंडीबाग), श्रींची चावडी, श्रीद्वारकामाई

४. फाटल्या पानाचेर – श्री साईबाबांच्यो पादुका

## ग्रंथ मेळपाची सुवात

१. श्री साईबाबा संस्थान विश्वस्तवेवस्था, शिर्डी – ४२३१०९ ता. राहाता, जि. अहमदनगर (महाराष्ट्र)
फोन – (०२४२३) २५८५००, २५८७३४ फॅक्स – (०२४२३) २५८८७०, २५८७७०

२. मुंबय कार्यालय – साईनिकेतन, डॉ. आंबेडकर रोड, दादर, मुंबई – ४०० ०१४.
फोन – (०२२) २४१६६५५६, २४१६१२९३ फॅक्स – (०२२) २४१५०७९८

*कळोवणी :– व्ही.पी.पी. पद्धत ना. ग्रंथाचें मोल आनी पोस्टाचो खर्च वेगळो दिवचो पडटलो.*